पुलीस पुलीस और पब्लिक

प्रकाश थळी

पुलीस पुलीस मार पिल्लुक

(नाटक)

मूळ इटालियन

डारियो फो

कोंकणी रुपकार

प्रकाश जी. थळी

गुलमोहर प्रकाशन

राय - साष्ट - गोंय - ४०३ ७२०.

PULIS PULIS MAAR PILLUK (Play)

Konkani adaptation by ***Prakash G. Thali***
of Dario Fo's Italian Original

© प्रकाश जी. थळी

उजवाडावपी :
प्रकाश जी. थळी,
वझरो, राय, साष्ट,
गोंय - ४०३ ७२०.

छापपी :
श्वंभवि प्रिंटर्स
नागेशी, बांदोडे - गोंय.

पयली उजवाडावणी - १९९४

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल : रु. ६०/-

अर्पण :-

ति. भाऊक :

म्हजो सगल्यांत व्हडलो भाव पुरुषोत्तम उर्फ मनोहर गंगाराम थळी हाका

आदरान -

प्रकाश थळी हांची हेर बरपावळ

मराठी

* वेटींग फॉर घासलेट व इतर एकांकिका (१९७६)

कोंकणी

* तीन खेतीं शाणी सुरतीं (एकांकीसंग्रह १९८७)
* अजिबपुरांतली कल्पकथा (नाटक, १९९०)
* क्रांतीसंगीत (संकलन १९९०)
* बंकिमचंद्र (संक्षिप्त चरित्र, १९९१)
* संस्कार (कन्नड कादंबरीचो अणकार १९९१)
* तियात्राचो इतिहास (१९९२)
  सगीना महतो (१९९४)
  एक आसलो आबू (१९९४)

येवचीं आसात

नाटकां :

* तीन तांगांचो तियात्र (ब्रेख्त)
* आगशेचें आबोलें पालासींत पावलें (शॉ)
* हयवदन (कर्नाड)
* रायगड जेन्ना जागो जाता (कानेटकर)
* अरे मायावी सरोवर (शेष)
* भायर थिकां भितर दुकां (शिरवाडकर)
* भुरगींबाळां जळांमळा (कानेटकर)

आलायदीं -

* जात्रा (कवितासंग्रह)
* साहित्यमंथन (संमीक्षा)
* फुलां आनि फुगेट्यो (निबंद)

म्हत्वाची चत्राय :

ह्या नाटकाचो प्रयोग करुंक सोदतल्यांनी येसायांक सुरवात करचे पयली रुपांतरकाराची लेखी मान्यताय घेवप गरजेचें. त्याखातीर सकयल्या नाम्याचेर पत्रवेव्हार करुन वा हेर तरेन संपर्क सादूं येता-

प्रकाश जी. थळी
वझरो, राय, साष्ट,
गोंय : ४०३ ७२०.

ह्या नाटकाचो पयलो प्रयोग गोंय कला ॲकॅडेमीच्या ११ व्या कोंकणी नाटकमहोत्सवांत बांदोडेंचे श्री नागेश महालक्ष्मी प्रासादीक नाट्यसमाज हे संस्थेन २७/२/१९८७ दिसा पणजे कला ॲकॅडेमीच्या उकत्या थेटरांत केलो.

: पयल्या प्रयोगाचे मानकार :

दिग्दर्शन : **अजित केरकार**

नेपथ्य : **विनोद तिळवे**

उजवाड : **प्रविण बांदोडकार**

आवाज : **शंभूनाथ केरकार**

पार्टी :

हवालदार राणे : **दिलीप ढवळीकार**

इ. देसाय : **अरुण काळे**

इ. सावंत : **संतोष केरकार**

सुपरिन्टेन्डेन्ट : **संदिप ढवळीकार**

पावसकार : **प्रविण बांदोडकार**

पिसो : **अजित केरकार**

(चत्राय : ह्या नाटकांत एकूय बायल पार्टी ना. पुण खंयच्याय डायरेक्टराच्यान गरज दिसल्यार पत्रकार पावसकार ह्या संवंगाचो लिंगबदल करूं येता.)

अंक पयलो

देखाव पयलो

(हो देखाव माचयेचे फुडले सुवातेर घडटा. स्टेजीर, एक केंस विसकटलेलो, दोळ्याचेर बारीक वक्ल, खांदार दोन - चार गच्च भरलेल्यो पोतयो हुमकळायल्लो - असो एक चमत्कारीक मनीस येता - लोकांकडेन पळोवन हांसता)

पिसो - नमस्कार, नमस्कार. थंडगार सभाघरांत, मोव मोव कदेलार, विलुदाच्या पड्ड्यामुखार बशिल्ल्या लोकांनू, नमस्कार. हात जोडून नमस्कार, बागोवन मुजरो, ओणव्यान कुर्निसात. (मात्शी शांतताय) हे म्हजे बागवप, ओणवो रावप, चड जिवाक लावन घेव नाकात. (हांसत) म्हाका तशी संवय आसा - ल्हानपणासावन संवंगां - अभिनय करपाची. सामको कोणूय, कितेंय जातां हांव. दोतोर, प्रोफसोर, पोलीस ऑफिसर, इन्कमटॅक्स कमिशनर, कोणायभाशेन वावुरतां. खंयीय - आनी नाटक सुरू करतां. म्हज्या नाटकाक - म्हाका गरज लागना - हे २० X २० लाकडी माचयेची - मुस्कटाक रंगीबेरंगी आलयाद काडपाची - पिनिल्ल्या लुगटाच्या सेटाची - ह्या भगभगपी स्पॉटांची वा अडेज वरांचे तीन अंकाचे काळाचे शिमेची.

म्हाका नाटकाक जाय पडटात - खरेलीं थळा, सुवातो, खरेलीं जीतींजीवीं मनशां. मागीर हांव अभिनयाक सुरवात करतां. घडणुको जल्मा येतात - घडत वेतात घडत रावतात.

(आतां माचयेर, एके मोटे बिल्डिंगेचें व्यंगचित्र येता - थंय बोट दाखोवन) ही ही फांतरांची, धोगांपोंगांची बिल्डिंग दिसता न्हय? तें पोलीस कमिशनराचें ऑफिस. तायट युनिफॉर्मांतले अधिकारी, चोर, दरोडेखोर, फटींग, गुंड, नागवणे, स्मगलर, ड्रग व्यापारी, बेबदे हांची गर्दी आशिल्ली ही बिल्डींग. तुमचे सारकिल्या सज्जन, सांवळेक भिंयेवन चलपी मनशांनीं हे बिल्डिंगेकडे मात्तूय पळोवपाची गरज ना. पुण ना बाबा, गोंदळ जाला, गडबड जाल्या -

(भितरल्यान वायरलेसीचो आवाज... थोड्या वेळान आवाज थांबता)

मजगतीं पुलीसांनी एका रेल्वे कर्मचाऱ्याक धरून हे बिल्डिंगेंत हाडलो - चौथ्या माळ्यार पोलीटीकल ब्रँचाचे कचेरेंत इन्क्वायरी सुरू जाली -

(हय न्हयशा उजवाडांत, फाटल्यांत इन्क्वायरी सुरू जाता - संवाद सकयल दिल्यात ते तरेचे. ह्या देखाव्यांत २ पुलीस अधिकारी, एक हवालदार - आनी रेल्वेकर्मचारी म्हणून, पिसो वांटो घेता.)

१) - उलय, उलय फोद्रेच्या -

२) - सांग - रेल्वेच्या दब्यांत बॉंब कोणे दवरलो ?

१) - उलय - मलकिर्यादा - बँकेंत स्फोट कोणे घडोवन हाडलो ?

२) - बापायक शिकयता मादरचोद!

१) - सोळा लोकांक तुवें खलास केले. आतां उलय, सांग बेगीन, नाजाल्यार (एक भिरांकुळ किळांच. पिसो परतोय मुखार येता. फाटले दिवे बंद - आनी एका मनशाचें बावलें सकयल पडटा) तर लोकांनू, इन्क्वायरी चालू आसताना रेल्वे कर्मचारी चौथ्या माळ्याच्या जनेलांतल्यान भायर शेंवटलो आनी रस्त्यार पडून मेलो.

(आतां तेच बिल्डिंगेच्या फाटल्यांनसून एक पुलीस हातांत तोणको आनी टॉर्च घेवन येता - पैसुल्या घड्याळांत बारांचे ठोके वाजतात - पुलीस फुडें सरून तें बावलें ओडटा - पिसो फुडें सरता)

पिसो - पुलीस, ए पुलीस, कितें जालें ?

पुलीस - दिसना ? मेलो.

पिसो - कोण आसलो ?

पुलीस - कित्याक जाय फुकटच्यो चौकशो? मायझवणो मरपाचो मेलोच. तुका फुकटचो शोव. वच, चल चल आपणाल्या कामाक.

पिसो - आगा पुण तो आसलो कोण ?

पुलीस - अतिरेकी, आक्रांतवादी, अत्रेकवादी, आतंकवादी, बंडखोर आसलो बंडखोर. भिरांकुळवादी, नालायकवादी, आजुदाची वादी, इत्यादी.

पिसो - पडलो कसो वयल्यान ?

पुलीस - जनेलांतल्यान उडकी मारली आनी जीव दिलो, आत्महत्या केली. चल चल झूर. काय तुकाय सुइसायड करपाची आसा ?

(पुलीस बावलें ओडीत बिल्डिंगेफाटल्यान व्हरता).

म्हण्टकच तो रेल्वेकर्मचारी पडून मेलो. पुलीस म्हणूंक लागले - तो बंडखोर, आक्रांतवादी आशिल्लो. ताणे जीव दिलो. मागीर कितें ? सरकारान कांय म्हाताऱ्यांक पुंजायले. तांची इन्क्वायरी कमिटी नेमली. कमिटीचो रिपोर्ट आयलो. रेल्वे कर्मचाऱ्याचें मरण ही सुइसायड न्हय. तो एक दुर्दैवी अपघात आशिल्लो - आरत्यो परत्यो खबरो पेपरांनी छापून आयल्यो. छायागीत, चित्रहार बी पळयतासतनाच टी. व्ही. चेर लोकांनी ही खबर आयकली - आनी लोक तापले. केन्नाच तापना तो तांचो सुशेगाद भेजो संतापलो. कांय जाणांनी भासाभास, चर्चा केली, लेक्चरां दिली, लेख बरयले - उरील्ल्यांनी दगडफेक, लूट चालू दवरली.

(आतां तेच बिल्डिंगेच्या फाटसून पुलीस एका हातांत बडी, दुसऱ्या हातांत हॅंगर, जाका कोट हुमकळायला, असो तरतरायत, चलत येता)

पुलीस - ए ऽऽऽ कोण तूं ? कितें पळयता ?

पिसो - बिल्डिंग.

पुलीस - तुका ताजमहालसो दिसलो व्हय ? बिल्डिंग पळयता खंय !

पिसो - आगा खरेंच -

पुलीस - फातर, गुंडे मारपाचो विचार आसा दिसता - फातर मारून मारून एक हारसो दवरलो ना मायझंयानी. ते पोतयेंत कितें आसा रे ? फातर काय बॉंब ?

पिसो - हॅं, हॅं.

पुलीस - उठ-सूठ मोर्चे काडटात, घोशणा दितात. जनतेची तकलीच

आवट जाल्या आवयखायरी. हापिसासकल सदांच पाड पडिल्ली करांदाय. ड्यूटी कशी करपाची आमी? चल, चल, फुट. काय लाठीहल्लो करूं?

पिसो - कितें राणेसायब - वळखलो ना ह्या गरीबाक?

पुलीस - आवय घोव व्हरून, कोण रे तूं?

पिसो - (वक्ल काडटा) - वळखले?

पुलीस - आवयझ... तूं रे? परतीय तकली आवट जाली तुजी?

पिसो - आगा राणे सायबानूं.

पुलीस - आवयखायरो दोतोर कितें, प्रोफेसर कितें, ऑफिसर कितें? दर म्हयन्याक नांव आनी धंदो बदलता तूं. भेस सामको वळखूंक येना मरे. सध्या कोण तूं?

पिसो - हे घेयात म्हजे कार्ड- प्रो. नारायण वामन आगशेकार - सायकियाट्रिस्ट - दवरात दवरात तें कार्ड.

पुलीस - सध्या दोतोरकी सोडली व्हय रे?

पिसो - आगा राणे सायब, कितें फायदो दोतोरकेचो? कोयरावरी आतां दोतोर जाल्यात वचत थंय आनी लोकांकडे दुडूय खुब जाला. सगले मेले खावन पियेवन सणसणीत. आनी दोतोर उपाशीं, जळारां मारतात.

पुलीस - तूं नांवां, धंदे बदल, लोकांक फटय आनी आमच्याफाटल्यान हीं झंगाटां लाय - (कार्ड पळयता) कार्ड मात बरें झेतार शापलां.

पिसो - कितें म्हणटा राणेसायब, म्हजें नवें नांव पाठ जालें मू?

पुलीस - आरे, तुजे असल्या वेडझव्यांचीं नांवां पाठ करपाक पगार मेळटा व्हय आमकां? चल, चल, फासाळ बेगीन तोंड घेवन. आवयखायरी पिडा खंयचे कडली.

पिसो - देसाय सायब आसात वयर?

पुलीस - हय व्हय आसात. ताचोच कोट घेवन भायर सरलां फेर्र मारपाक.

पिसो - कितें? देसायसायबांचो कोट? आरे वा! वा! सायबांचो खाशेलो प्रोग्राम आसा दिसता आयज!

पुलीस - हय व्हय. सायब मायलेभायर सांजे लग्नाक वचपाचे आसात बीच रिसॉर्टांत.

पिसो - कोणालें लग्न ?

पुलीस - बाखियानी सायबाचे धुवेचें.

पिसो - बाखियानी म्हणचे तो स्मगलर व्हय ?

पुलीस - श्शू... आवयझ... तिस्कार रावून फालतू करांदाय नाका... चौकश्यो पुरो... चल, चल आपणाल्या कामाक. हो मडवळ खंय गेलो काय, कोट थंयच उरतलो आनी देसायसायब बॉब मारीत रावतलो वयर - (पुलीस फालींत वता)

पिसो - तर लोकानूं, आतां नाटकाक सुरवात करूया : अमुक अमुक थियेटर, तुमकां दाखयता :

डारियो फो हाच्या मूळ इटालीयन नाटकाचेर आधारीत ॲन ॲक्सिडेंटल डेथ ऑफ ॲन ॲनार्किस्ट' ह्या इंग्लिश नाटकाचेर आधारीत कोंकणी नाटक-

''एका आकांत वाद्याचो अपघाती अंत'' ऊर्फ 'पुलीस पुलीस मार पिल्लुक'

बरोवपी : प्रकाश थळी

बसोवपी : —

पुलीस - (फालींतल्यान येवन - हातांत कोट आसाच) ए ऽऽऽ नाटक बंद कर, नाटकां म्हणटात तीं बंद. आतां लक्षांत आयलें. तुका ॲरेस्ट करून लॉकपांत उडोवपाची ऑर्डर आसा.

पिसो - आगा पुण हांवें कितें केला ?

पुलीस - भेस बदलून लोकांक नागय, फटय आनी वयल्यान व्हडल्या तोंडान म्हाकाच विचार - चल. चल वयर मोन्यांनी.

(पुलीस ताच्या गोलाक धरून ताका ओडीत व्हरता. बिल्डिंगेचें चित्र वता - काळोख. पयल्या माळ्यार क्रायम ब्रँचचें आफिस आसा. एक जनेल, दोन दारां, वणटीर फुडाऱ्यांची चित्रां, टेबल, खुर्च्यो, कपाट, स्टँड, फायलींची रास. उजवाड येता तेन्ना इन्स्पेक्टर देसाय फोनार उलयताना दिसता)

देसाय - हॅलो - क्रायम ब्रांच. इन्स्पेक्टर देसाय हियर! कोण? बाखियानी शेटजी! गुड मॉर्निंग, गुड मॉर्निंग सायब - तुमचो मनीस आमंत्रण दिवन गेलो. हय व्हय येतां येता. सांजे येतलोंच लग्नाक. तुमी फोन करीना जाल्यारूय जातालें. सायब, आगा रिमायंड करचेली किर्ते गरज आशिल्ली? लग्नाचें कोण केन्ना विसरता? हय सायबानूं - सांजे मेळुया - गुडबाय (पुलीस कोट घेवन येता)

पुलीस - सायबानूं - हो कोट - (कोट स्टॅंडार लायता) आनी सायब तो पिसो सकल मेळ्ळो. ताका सरळ लॉकपांत उडोवया काय ताका भितर हाडूं?

देसाय - भितर हाड ताका. (पिसो भितर येता - थंडपणान) परतीय केली भानगड? हजार फावटी वॉर्निंग दिली तरीय तुगेल्यो भानगडी चालूच मरे? कितले फावटीं तुकां आमी अरॅस्ट करून भितर उडयला? ४२४० - ?

पुलीस - (आहृत)

देसाय - ४२४० - किर्ते जालें?

पुलीस - सायब. हुंदरांच्या पांदऱ्यांत हात शिरकलो. आवय! हाताची कातूच आयली.

देसाय - ४२४०?

पुलीस - सायब

देसाय - हागेली फायल घे. (पुलीस फायल हाडून दिता. देसाय फायल चाळटा) दोनफावटी दोतोर, एक फावट स्वामी, एक फावट प्रोफसोर, एकदां पुलीस इन्स्पेक्टर, एकदां इन्कमटॅक्स कमिशनर.

पिसो - सायब, दवरात ती फायल. म्हाका सगलें पाठ आसा. सगलें मेळून तुमी अिकरा फावटी म्हाका आजमेरेन ॲरॅस्ट केला.

देसाय - तरीय जावन तूं तुगेल्यो भानगडी करपाचें सोडीना.

पिसो - सायब! एकूय फावट म्हजेवेलो आरोप प्रोव्हार जावंक ना. दरेक फावट हांव निरपराध म्हुण सुटलां. सामको ऑर्राद इनोसेंत म्हुण रिहा जालां. म्हजो रॅकॉर्ड नितळ बरो आसा.

देसाय - धा फावटी सुटला जाशीत पुण आयज मात तूं सुटचोना.

पिसो - आयज म्हजो गुन्यांव कितें ? कितें आरोप दवरतले म्हजेर ?

देसाय - तुजेर आरोप आसा, तूं एक सायकियाट्रीचो प्रोफसोर आनी मुंबय विद्यापिठाचो आदलो लेक्चरर म्हुण फटीचें नाटक केलां तुवें.

पिसो - सायब, तुमकां खबर आसा. नाटकाचें म्हाका पिशें - अभिनय ही म्हजी हॉबी.

देसाय - नाटकां थेटरांत वचून कर.

पिसो - सायब दुडू ना, स्टेजीचें भाडें, लायटीचें बील, नटांची नायट, लेखकाची रॉयल्टी इतलो दुडू खंयच्यान हाडूं ? म्हजी स्टायल जाणा ? खरेल्या लोकांमदीं वचून नाटक करप - बीन दुडवांचें नाटक.

देसाय - तुवें आपुण सायकियाट्रिस्ट आसा अशें सांगून लोकांक फटयल्यात. जाणा जावन बळयां तांचो विस्वासघात केला. हो कायद्याचे नदरेंन व्हडलो गुन्यांव.

पिसो - सायब, हांव पिसो, एक पिसो मनीस. एक सर्टिफायड पिसो. हे पळयात म्हज्यो सर्टिफिकेट्स (दाखयता)

देसाय - शटाप् ! हो रिपोर्ट - सायकियाट्रिस्ट म्हणून लोकांक फटीची ट्रीटमेन्ट दिली, तांचेकडल्यान दोन दोन हजार रुपया घेतले तुवें-

पुलीस - आनी ह्या पिश्याक लोकांनी दोन दोन हजार रुपये दिले ?

पिसो - आगा, म्हजेसारकिल्या क्वालिफायड मनशाक दोन हजार म्हणचे कांयच न्हय.

देसाय - कसलें क्वालिफिकेशन आसा तुजेकडेन ?

पिसो - देसाक स्वातंत्र्य मेळत सावन बद्द फाटलीं ४७ वरसां हांव पिश्यांच्या हॉस्पिटलांत आसां. सगले असायलम्स भोंवलों. सायब, पिश्यांच्या हॉस्पिटलांत कोण नासता काय विचारात. व्हडले व्हडले दोतोर, रिसर्चवाले, शास्त्रज्ञ, गणितज्ञ - स्वातंत्र्य मेळतसावन सगले हुशार लोक पिश्यांच्या हॉस्पिटलांत आसात - आनी खरेले पिशे, थार पिशे - भायर

बावटे फुलोवन, नाचत स्वातंत्र्योत्सव मनयतात. सायकियाट्रिस्ट म्हुण हांव पुराय लायक आसां.

देसाय - तुका तांतूतलें कितें कळटा ?

पिसो - सायब, एका गिरेस्त गुजरात्याच्या पोराक एक सारकीं सपना पडटाली. राकेसांचीं, भुतांचीं, राकेस - भूतां पळोवन तो भुरगो थार पिसो जालो. हांवें त्या भुरग्याक पळयांत अत्रे फस्कलास सातामेंत दिलो ?

देसाय - फी म्हणून त्या गुजरात्याकडल्यान कितले दुडू हातासले ?

पिसो - इन्स्पेक्टर सायब, फी म्हणटात ती त्रातामेंताचोच एक म्हत्वाचो वांटो आसता.

देसाय - म्हणचे ?

पिसो - आगा फी चड तितलो दोतोर ग्रेट. पांच धा रुपया फी घेवपी दोतोरांची, थंडी - खोकलेचो दोतोर म्हुण लोक फकाणां मारतात - कुत्रो लेगीत तेवटेन पासय मारीना - स्पेशालिस्ट म्हुण पाटी लायात, कन्सल्टिंग फी ५०० रुपया सांगात, वायटकारांची घे गर्दी -

देसाय - हांगांच तूं फारावलो.

पिसो - कसो फारावतलों ?

देसाय - त्या गुजरात्यान तुजेर कम्प्लेन्ट केल्या. आतां तूं सुटना. आतां वच भांचोदा फातर फोडपाक आग्वादांत - हें कार्ड कोणालें ?

पुलीस - ताचेंच तें सायब. निकर्तेंच असलें एक कार्ड ताणे म्हाका सकयल दिल्लें.

पिसो - म्हजेंच तें.

देसाय - प्रो. नारायण वामन आगशेकार, फॉर्मरली लेक्चरर ॲट बॉम्बे युनिवर्सिटी - खरें काय फट ?

पिसो - खरें.

देसाय - अर्थ कितें जाता हाचो ?

पिसो - सायब, इंग्लीश जड वता जाल्यार हें घेयात - खासा तुमचे सारकिल्या गोयंकार लोकांखातीर आवयभाशेंत देवनागरी लिपयेंत शापिल्लें कार्ड वाचात.

देसाय - प्राध्यापक नारायण वामन आगशेकार

पिसो - Correct ! इन्स्पेक्टर सायब, हांव एक प्रोफसोर.

देसाय - फुडें मनोरुग्णतज्ञ अशें बरयला.

पिसो - सायब, मदीं स्वल्प विराम आसा. तज्ञाचे फुडें पूर्णविराम आसा.

देसाय - भूतपूर्व लॅक्चरर, बॉम्बे विद्यापीठ - खरें हें ?

पिसो - सायब, भूतपूर्वाचे फुडें परतोय स्वल्पविराम येता, विद्यापिठाफुडें पूर्णविराम.

देसाय - कितें फरक पडटा ह्या शेंटभर विरामांनी ?

पिसो - खूब फरक पडटा. स्वल्पविरामा उपरांत मातशें थांबपाचें, ल्हानसो स्वास घेवपाचो. पूर्णविरामाउपरांत चड वेळ थांबपाचें - खोल स्वास घेवपाचो. सगले अर्थ सामके बदलतात. पळयात. प्रो. नागेश नारायण आगशेकार - स्वल्पविराम - घेयात ल्हानसो स्वास. मनोरुग्णतज्ञ - पुर्णविराम - रावात - व्हडलो स्वास घेयात. भूतपूर्व - स्वल्पविराम - घेयात ल्हान स्वास. लॅक्चरर मुंबय विद्यापीठ. आतां सांगात, अर्थ बदललो काय ना ?

देसाय - हय मरे, केन्ना लक्षूच दिलेंना असल्या गजालींचेर.

पिसो - सादे व्याकरणाचे आनी शुद्धलेखनाचे नेम तुमकां खबर नासतात देखून म्हजेसारकेले निरपराध मनीस कादयेंत पडटात. पुण तुमी भियेंव नाकात. हांव शिकयतां तुमकां भास व्याकरणा सयत. येयात, येयात राणेसायब, म्हणात : अ, आ, इ - म्हणात म्हणात राणे सायब - भियोंवं नाकात कोणाक. गिन्यान मेळयतलो जाल्यार केन्नाच कोणाचो भंय बाळगुंचो न्हय ! म्हणात अ, आ, इ.

पुलीस - अ, आ, ई -

देसाय - भांचोद - फालतू बकवास बंद -

पिसो - हेंच तें, हेंच तें. भास येना म्हणटांलों तुमकां तें ह्याचखातीर. इन्स्पेक्टरसायब, एका ल्हानशा कोंकणी वाक्यांत बकवास, भांचोद

उक्तावणां कर, सरकार कमिशनां आजोग बी नेमता. थंय तर हे म्हातारे हटकून हजर.

देसाय - ए ऽऽऽ नाटकां बंद कर आतां तुजीं. हें गोंय, करनाटक न्हय. नाडपेन्ना करून आमकां घोळकावं नाका. जुईज जातलो, जुईज ?

पिसो - जातलोंच. जातलोंच हावं एक दीस जुईज.

देसाय - आतां बडबड बंद कर. नाजाल्यार दांत घालतलों ताळ्यांत तुज्या. ४२४०, घाल हाका बेडयो आनी दी शेंवटून मेल्याक लॉकअपांत. (राणे फुडें सरता)

पिसो - राव, राव, फाटीं सर. नाजाल्यार कचकचीत घांस काडटलों हांव.

पुलीस - सायब, हो सामको पिसो, थार पिसो.

देसाय - आरे, धर, धर ताका.

पुलीस - सायब, तकली घुंबल्या हाजी. सामको आवट जाला तो.

पिसो - भूक ऽऽ भूक भूक. फाटीं म्हाका एक सुणो चाविल्लो. बरो गडगंज आल्सेशियन. २१ इंजेसांवां तोपलीं पोटाक. पुण गुण ना. भाद्रपद म्हयन्यांत सुणो संचारता म्हजे कुडींत. भूक ऽऽ भूक भूक.

देसाय - बेचाळीसचाळीस! सर फुडें. हो अवचिंद मालक्रियाद नाटका करतां. घाल घुरी.

पिसो - घुरी घालतलो ? जांगडाकूच घांस काडटलों हांव. (पिसो राणेचें जांगड धरता)

पुलीस - सायबानूं, सायबानूं, जांगड धर्ल्लें म्हजें ह्या आवट्यान. घांस काडटलो तो. जांग फुकट वतली म्हजी. सांयबानूं, म्हजें जांगड.

देसाय - बेचाळीसचाळीस. कितें आडायलां हें ? कसलीं अवचिंदपणा ? ही ड्यूटी तुजी. कर ताका अरेस्ट. बेगीन.

पुलीस - सायबानूं, हें म्हजें काम न्हय. फोन करात आनी कुत्र्याची गाडी आपयात.

देसाय - बेचाळीसचाळीस - (पिसो आतां सुण्यावरी चलूंक लागता.

देसायाचे कदेलीकडेन वचून दोंको वयर करता, सुण्याभाशेन. इन्स्पेक्टर देसाय आनी पुलीस कॉन्स्टेबल राणे ताचेर झडप घालतात पुण तो फासाळटा. वचून जनेलाचेर चडून बसता)

देसाय - मादरचोद, मालक्रियाद!

पिसो - (वेल्यान सकयल पळयत) कितलो माळो हो? आतां हुडकीच मारतां हांव सकयल -

देसाय - हावूंच शेंवटितां अवचिंदांक सकयल -

पुलीस - सायब, सायबानू, तो बंडखोर आकांतवादी पडून मेलो तें लफडें अजून जाग्यार पडूंक ना. आतां हो पडून मेलो बिलो जाल्यार आमच्यो शिर्विसो वतल्यो.

पिसो - सांगांत आतां इन्स्पेक्टर! सकल हुडकी मारतां आनी सामको फुटपायरेचेर पडटां. मरचेपयलीं बॉब मारून लोकांक एकठांय करतां. सगल्यांक सांगतां, तुमीच म्हाका धुकल्लो म्हणून.

देसाय - ए ऽऽ य, राव, राव बाबा. नसतें लचांड करूं नाका.

पिसो- तुमीच म्हजेर अत्याचार केलो.

देसाय - केन्ना रे, केन्ना केलो अत्याचार?

पिसो - तुमीच म्हाका पिडापीड भोगयल्या.

देसाय - खंय रे केल्या पिडापीड?

पिसो - तुमीच म्हजेर धपको दिलो. आतां हांव चल्लों - गुडबाय, आदेवास...

देसाय - आरे बाबा, नाका नाका. उपकार करून असलें कांय करूं नाका.

पिसो - हो पळय हांव कोसळटां, चल्लों, सायोनारा, सायोनारा.

देसाय - बाबा रे, उपकार करून सकयल दैव थंयचो. आमी तुका कांयच करीनात, जालें?

पिसो - सेर्त सांगता?

देसाय - हय रे बाबा, सेर्त.

पिसो - मतींत दवरात. इंडियन पिनल कोडच्या १२२ व्या कलमाप्रमाण मानसिक पिडेच्या रोग्याक पिडापिड आनी हत्या म्हणल्यार -

देसाय - ५ ते १५ वरसांची बंदखण आनी सिर्विस डिसमिस.

पिसो - शाब्बास! (पिसो जनेलावयल्यान सकयल देंवता. पुलीस ताबडतोब जनेल बंद करता)

पिसो - जनेल बंद करून म्हाका बडोवपाचो बेत आसा काय दिसता. पुण म्हजें कितें आसा? जनेल नाजाल्यार इस्काद् (दाराकडेन धांवता) हो पळय हांव इस्कादी वयल्यान हुडकी मारतां. एका मिणटांत किळांच मारून हांव रस्त्यार आनी तुमचो दोगांयचो फुडार वाऱ्यार.

देसाय - बेचाळीसचाळीस - दार बंद करतें. (पुलीस दार बंद करता)

पुलीस - सायबानूं, दाराची चावी खंय दवरूं?

पिसो - भायर मार जनेलांतल्यान.

देसाय - आं? (पुलीस जनेलाम्हऱ्यांत वता)

देसाय - बेचाळीसचाळीस. कितें चल्ला हें?

पुलीस - सायब, दाराची चावी?

देसाय - आरे ती आलमारींत दवर (पुलीस चावी आलमारीत दवरता)

पुलीस - आनी सायब, आलमारीच्यो चावयो खंय दवरूं?

पिसो - गिळून उडय.

देसाय - गिळटां (पुलीस चावयो तोंडांत घालता. सकयल जनमीर आडवो पडून हातपांय बडयता)

देसाय - आरे बेचाळीसचाळीस? कितें जालें तुका? हातपांय कित्याक बडयता?

पिसो - सायब, ताच्या ताळ्यांत चावी शिरकलीशी दिसता.

देसाय - ताळ्यांत चावी कशी शिरकतली?

पिसो - तुमीच ताका ऑर्डर दिली न्हय? चावयो गिळपाची?

देसाय - आरे, आरे, तुमी हें कितें आडायलां?

पिसो - सायब, बेचाळीसचाळीस घुसमटून मरतलो, बगलांट तुमचेर येतलें. तुमची सिर्विस -

देसाय - आरे देवा -

पिसो - भियेवं नाकात, हात घालात, हाका सकलवयर करूया मातसो. (पुलीसाची तकली सकयल आनी पांय वयर करतात. पुलीस

चावी ओंकता)

देसाय - शी ऽऽ सायबा. हें सगलें सगलें विचित्र आनी भिरांकुळ. म्हाका आतां पिशें लागतलें काय दिसता. तकली आवट जावपाकडेन पावली. (पिश्याची कॉलर धरता) आवयझवणेच्या - तूं आपणाक कोण समजता? पिसो काय देडशाणो?

पिसो - खऱ्यांनीच पिसो!

देसाय - हांव तुजो बापूस जावन आसां - बापूसय - थार पिसो! बेचाळीसचाळीस, दार उगड.

पिसो - सायबानूं, प्लीज म्हाका.

देसाय - चल, वास्सीमोर फोद्रेच्या, वच आनी इश्कादीवेल्यान जीव दी.

पिसो - सायबानूं -

देसाय - चल तोंड घेवन मेर्दा, रेल्वेपोंदां वचून न्हीद.

पिसो - सायबानूं, प्लीज. हांव तुमकां गुंडाकडल्यान तांचे गुन्यावं कशे वदोवन घेवचे तें शिकोवं? कांय आयडियास् शिकयतां.

देसाय - मेल्या, वच आनी हुंदरांचें वखद खावन मर.

पिसो - सायबानूं, हांव तुमकां एक रीत शिकयतां जातूंत मार बसता पुण घाय कोणाक दिसपाचो ना.

देसाय - भायर वचून बापायक शिकय तुगेल्या.

पिसो - सायबानूं, म्हाका बॉंब तयार करूंक कळटा.

देसाय - आवट् ! वास्सीमोर !

पिसो - हांव तुमकां खंयच घुसपनासतना हप्ते घेवपाच्यो ट्रिकी शिकयतां.

देसाय - भानचोद, गॅट आवट ! (पिश्याक धुकलून भूंय उडयता. ताच्या खांदावेल्यो पोतयो पयस भिरकावन मारता. पिसो दारांतल्यान वता)

देसाय - सुटलों, सुटलों एकदांचो. असल्या चक्रमांक परतोय हांगा धरून हाडल्यार हांवूंच जनेलांतल्यान हुडकी मारून जीव दितलों. कितलीं वरां जालीं बेचाळीसचाळीस?

पुलीस - अकरा चाळीस.

देसाय - तकली कामांतल्यान गेली. आतां एक च्या माल्लेबगर काम जावपाचें ना. चल यो बेचाळीसचाळीस. सकयल हाटेलांत च्या मारून येवया. (दोगूय वतात. दुसऱ्या दारांतल्यान पिसो लिपत लिपत भितर सरता)

पिसो - इन्स्पेक्टर, ओ इन्स्पेक्टरसायब. हांव परतोय आयलां, रागार जांव नाका. हांव फक्त म्हजीं कागदां, पोतयो बीं व्हरपाक आयलां. कोण आसा? आसा कोण पुण आफिसांत? (टेबला म्हऱ्यांत वचून वाचता) मेडिकल रिपोर्ट, व्ही. कार्ड, चार्ज शीटस, हें कितें? (दुसऱ्यो फायली पळयता) चोरी - मारी ? आरे वा! हें आनीक कितें? दर्यावेळेर चलयांचीं फकाणां, शिंदळकी, वा! वा! हें - दगली, लुटमार, वाः गरिबी हटोवपाची आसल्यार देसांत दंगली म्हणटात त्यो एका फाटोपाट एक अशो एकं सारक्यो जावंकूच जाय. हें कितें? चोरी. कार चोरून पळटल्या चोराक सायकली वेल्यान फाट धरून सांपडायलो. शाबास! भियेंव नाकात. आतां तुमचो निवाडो हांव करतलों - आरे, साक्षात रामशास्त्रीच तुमचो न्यायनिवाडो लावपाक हांगां आयला. (फायली जनेलांतल्यान भायर उडयता.) सुटलो - तुमी सुटले - स्वतंत्र जाले. आतां त्या कागदांत बाटाटवडे बांदात, शेवचिवडो गुठलायात. सुटका मनयात. (आलमार उगडटा) हे कोण? काळोबाजारवाले, ब्लॅकीस्त, स्मगलर्स. तुमी मरात. आलमारीतूच. फुगार जायात. जल्ल्यांनी मातशें तुमकां चाबडायल्यार पुरो. हांव कित्याक सोडोवं तुमकां? श्रेष्ठींचो, हायकमांडाचो आदेशूच तुमकां सोडयल्यार सोडयत. आतां ल्हान ल्हान लोक खंय आसात ते? तांकांच खरी आमची गरज - (फोन वाजता. पिसो फोनार उलयतां उलयतां एकेक फायल जनेलांतल्यान भायर मारता)

हेलो - इन्स्पेक्टर देसायाचें आफिस. तुमी कोण उलयतात? ना ना तुमचें नांव पयलीं सांगात. नांव सांगात, मागीरूच देसायाकडेन फोन दितां. कोण? इन्स्पेक्टर सावंत?

(फोन मातसो पयस धरून)

आरे देसाय, आयकलें मरे देसाय? आरे हो पोलिटीकल ब्रांचीचो आवयझंवणो इन्स्पेक्टर सावंतुलो उलयता. हॅलो, सावंत सायब - हांव कोण? हांव कोण काय म्हणटात? (फोन पयस धरून)

आरे इष्टा, वळखून घे तरी पयलीं म्हाका. मात्सो तुज्या त्या भिकारचोट भेज्याक मात्सो त्रास दी - करेक्ट! (फोन पयस धरून)

देसाय, वळखलो रे आवाज हाणें. (फोनार)

बरोब्बर, आरे हांव तुजो काश्टीईष्ट इन्स्पेक्टर नायक. पणजे किर्ते करता काय म्हणटा? आरे झक मारतां. तुजें किर्ते काम आसा देसायाकडेन? आरे देसाय न्हिदला टेबलाचेर धेंगल्यो वयर करून. आं ऽऽ? किर्ते? त्या आकांतवाद्याचें केशीची फायल जाय? खंय, खंयशी आसतली ती? हांव हाडटां राव. पोलिटिकल सेक्शनांत? बरें बरें. आनीक किर्ते खबर? तुमचें किर्ते चल्लां थंय आफिसांत? तासतात? हजामत? वा. टेन्शन? आरे कसलें टेन्शन? हां, हां. त्या आकांतवादी प्रकरणातली पयली वासपूस जाली म्हणटा. त्या जुइजाचेर सरकाराचो विस्वास ना? बरें, मागीर आतां फुडें? परतोय सगलीं इन्क्वायरी नव्यान सुरू जाल्या म्हणटा - (हांसता)

म्हणटकीर तुमी सगले सामके गेले धब्यांत? आतां नवो जुईज कोण येता इन्क्वायरेक? किर्ते नांव म्हणलें? जस्टीस विश्वास चौधरी? हायकोर्टाचो. म्हणटकच परतेयं सगलें लफडें सुरू तर - (फोन पयस धरून, लोकांकडे पळोवन)

लोकानूं - हो जस्टीस विश्वास चौधरी - नांव मातशें मतींत दवरात. आमकां तें उपकरा पडटलें. (हांसता)

आरे ओगी, कोणी आयकत राव देसाय (फोनार)

आरे हो मेलो देसाय हांसता (फोन पयस धरून)

आरे देसायं, सावंत म्हणटा ताजी सामकी पॅन्टीसयत

फाटली आनी तूं मेल्या हांसता? माततरी लज बाळगी (स्वतःच हांसता)

शट् अप, शट् अप देसाय! (फोनार)

हॅलो सावंत, हांगां देसायाक कातकुतल्यो जातात. कातकुतल्यो. उमेदीन हांसता तो - तो म्हणटा इन्क्वायरेंत तुमी भद्दतले. सामकी धोंगसून धोंगसून मारली तुमची अशें जावपाचें आसा. (फोन पयस धरून)

देसाय, आरे ओगी रावरे. सावंत आयकता सगलें. कितें? (फोनार)

हॅलो, हॅलो, देसाय - सावंत म्हणटा तुज्या बापायकपसून तो भियेंना. तूं आनी तुजो तो धोलयो सायब - दोगूय फोंडांत वचात म्हणटा. (फोन पयस धरून)

यू ऽऽऽ देसाय, आरे देसाय थुकता तुज्या तोंडार (थूत्) आरे देसाय, मात्शें ल्हव, थुकी उसळ्ळी हांगां - (फोनार)

हॅलो, खूब तेंप वाट आडायली खंय तुवें ताच्या प्रमोशनाची, आतां मर - खंयतरी, भिकाऱ्या गावांत सडत राव ट्रान्सफर जावन, नाजाल्यार मर सरळ भोंकार खोंट खावन थू ऽऽऽ

देसाय, थुकूं नाका हां - सावंत तापला ते वटेन - तो म्हणटा, तो मेळटकच तुजें सोंडूच फोडटलो. थूऽऽऽ (फोन दवरता)

चला, चला भेंसबरें काम जालें. लोकांनूं, नांव कितें म्हणिल्लें तें? येस्. येस् जस्टीस विश्वास चौधरी - जज्ज - हायकोर्ट. करेक्ट करेक्ट. एकूच इत्सा उरिल्ली न्यायाधीश, जुईज जांवचेली. जस्टीस विश्वासराव चौधरी. आतां पुराय बदलूंक जाय हांवें. भायर भितर सामको. खुद्द पुलीस अधिकाऱ्यांची इन्क्वायरी. ही फक्काणां उपकारनात. मातशी मिश्टेक जाली जाल्यार हातांत बेडयो आनी हांव भितर - (मात्सो फिल्मी जावन)

मुजरीमको बाइज्जत रिहा किया जाता है - हॅ, हॅ! फिल्मी

जुईज उपकारना (परतोय बदल करता)

बंडखोर, आकांतवादी माळयेवेल्या जनेलांतल्यान शेवटलो तेन्ना तुमी लोक खंय आशिल्ले ?

हँ, हो तर मराठी नाटकाच्या तिसऱ्या अंकांतलो जुईज जालो. जुईज म्हणटात तो कसो खरोखुरो जितोजिवो तट्टटीत दिसूंक जाय. (कोटाकाडेन लक्ष वता)

आरे! हो कोट! देसायाचो - गरमागरम कडक्क फेर्रात. (कोट घालता)

कितें ? आतां दिसतां काय ना विश्वासराव चौधरी भाशेन ? ऑर्डर ! ऑर्डर! बोवाळ नाका. जल्मठेप, मरमेरेन फांसार, आहाऽऽ (भायल्यान देसायाचो आवाज) बेचाळीसचाळीस, हांव आफिसांत बसतां. एक पानपट्टी सकयल वचून घेवन यो ?

देसाय - (प्रवेश करता) मिस्टर, कोण जाय तुका ? कोणाक मेळपाक आयला ? आरे तूं ? तूं, मालक्रियाद, परतोय हांगां पावलो ?

पिसो - रागार जावं नाकात सायबानूं - हांव फक्त म्हजे पेपर्स आनी पोतयो व्हरपाक आईल्लो.

देसाय - आउट ! आउट !

पिसो - बरें सायबानूं, पुण एक म्हत्वाची गजाल सांगपाची आसा.

देसाय - आउट ! तोंड घेवन वच तूं.

पिसो - आयकात तरी सायबानूं - खूब इम्पॉर्टन्ट आसा.

देसाय - कितें जालें ?

पिसो - सायबानूं, तो पोलिटिकल ब्रान्चाचो इन्स्पेक्टर सावंत भयंकर तापला.

देसाय - कित्याक ?

पिसो - म्हाका खबर ना. पुण तो सगल्याक सांगत आसा - आपुण रोखडेंच इन्स्पेक्टर देसायाचें सोंड फोडटलों.

देसाय - गॅट आउट ! तोंड घेवन वच हांगासल्लो भांचोद !

पिसो - वता सायबांनू ! पुण तुमी सांबाळून रावात ! (पिसो वता. देसायाचें स्टॅन्डाकडेन लक्ष वता. कोट गायब)

देसाय - आं? कोट खंय म्हजो? कोट? मालक्रियाद कोट घेवन पळ्ळो. बेचाळीसचाळीस, ४२४०? त्या पिशाची बेगींन फाट धर.

पुलीस - (भायल्यानूच) हां सायबानूं.

देसाय - (फायली मेजार अस्ताव्यस्त पळोवन) आरे हें सगळें कोणे विस्कटायलें? फायली खंय गेल्यो? चार्जशीटस् खंय पावल्यो? (इन्स्पे. सावंत तिडकून प्रवेश करता)

देसाय - यो, यो, सावंत यो! आज अचकीत आमची याद कशी जाली? आत्तां हांगां एक पिसो आइल्लो. तो सांगतालो, तूं खंय म्हजेर एकदम तापार जाला - मेळटकीर म्हजें - (इन्स्पे. सावंत देसायाच्या कानसुलार फुलयता - काळोख)

देखावो ३ रो

(चवथ्या माळ्यार पोलिटिकल ब्रांचीचें आफिस. फाटल्या नेपथ्यांत मातसो बदल. पिशाचें वेगळेंच भेसांतर - न्यायाधीश जावन आयला. हळूच टेपरॅकॉर्डर काडून टेबलोपोंदां दवरता अीन ओग्गी कदेलार बसून रावता)

हवालदार - सायब, ओ सावंत सायब. कोण एक मनीस तुमच्या आफिसात रिगला. आडायल्लो ताका पुण तो आयकुपी दिसना.

इन्स्पे. सावंत - (भायल्यानूच) कोण रे तो?

हवालदार - चोरसो दिसना. जंटलमन, व्हडलो ऑफिसरसो दिसता.

सावंत - कितें काम आसा खंय?

हवालदार - तुमचेकडेन आनी व्हडल्या सुपरिन्टेन्डेन्ट सायबाकडेन उलोवंक जाय म्हणटा - (सावंत हात चोळीत प्रवेशता) गुड मॉर्निंग सायब, गुड मॉर्निंग. आमी तुमची कितें सेवा करपाची?

पिसो - हाताक कितें जालां तुज्या?

सावंत - खंय कितें?

पिसो - परतो परतो चोळटा कित्याक तर?

सावंत - खंय चोळटां? कांय ना. तुमी कोण म्हणलें?

पिसो - असो एकसारको हात चोळीत तुंमी अस्वस्थ, काचाबूलशे दिसतात. सतत कितेंय पुण लिपोवपाचो, लोकांक फटोवपाचो, ढोंगा, सवंगां करपाचो यत्न करीत असा. इन्स्पेक्टर सावंत मेकळो जा, फ्री जा, कॉन्फिडन्टली वावुरचें. सहज सोप्यो हालचाली कर.

सावंत - पुण सायब, तुमी कोण तें...

पिसो - सावंत, तुजें आनी तुजें बायलेचें हालीं बरें वचना काय कितें? नोकरेच्या निमतान तुजें सदांच भायर रावप, मध्यान रातच्यो त्यो पार्थ्यो बायलेक तुजो सांगात जाय. पुण तो तिका मेळना. मागीर घरांत आदळआपट झगडीं, केस्तांवां...

सावंत - पुण सायब-

पिसो - सावंत, लग्नाक कितली वरसां जाली?

सावंत - धा.

पिसो - तुका भुरगीं कितलीं?

सावंत - दोन. पुण...

पिसो - भुरग्यांकूय तूं फावो तितलो वेळ दिना. भुरग्यांक बापूय अनवळखीसो जाला. अशा बापायक भुरगीं भियेवन वागतात पुण मनांत इल्लो तिरस्कार.

सावंत - सायब - म्हाका एक सांगशात तुमी -

पिसो - सावंत, मेकळो जा, फ्रीली वाग. हात चोळीत रावप म्हणजे अस्वस्थ, काचाबूल जाल्ल्याचीच लक्षणां.

सावंत - कोण तुमी ? अशे सरळ आफिसांत रिगतात आनी फुकटचें म्हाका लॅक्चर दितात! कोणे मागला तुमचेकडेन उपदेस? नाकाशिल्ल्यो वासपुसो कित्याक चलयल्या?

पिसो - वासपूस, बरोबर. वासपूस म्हणजेच इन्क्वायरी. हांव इन्क्वायरी करपाखातीरूच आयलां हांगां. सरकारान धाडला म्हाका.

सावंत - म्हणजे तुमी

पिसो - जस्टीस विश्वासराव चौधरी. जज्ज हायकोर्ट, फॉर्मर्ली अ लॅक्चरर ॲट गवर्नमेन्ट लॉ कॉलेज, पुणे.

सावंत - आवयस्, देवा म्हज्या! सॉरी आं, सॉरी सायबानूं.

पिसो - सावंत, असो भियेवं नाका. हात जाल्यार मातूय चोळूं नाका.

सावंत - सायबानूं, तुमी वासपुशेखातीर येवपाचे आशिल्ले हें 'जाणा आशिल्लों हांव पुण इतले बेगीन -

पिसो - सामकें बरोबर. जाला किर्ते जाणा? आमचेलागीं कसल्याच कामाक ताकीत नासता. दरेक गजालीक चडातं चड कळाव लावप आनी ते गजालींतली गंभीरताय मारून उडोवप अशी आमची सरकारी पद्धत आसता. हांव असो देरेपेंत अचकीत आइल्ल्यान तुजी किर्ते अडचण बी जाली ना मूं?

सावंत - ना, ना, सायब.

हवालदार - सायबानूं - बसात बसात मूं तुमी!

पिसो - सावंत, सुपरिन्टेन्डेन्ट वालावलीकाराकूय आपोवन हाडात हांगां - हांव रोखडोच कामाक सुरवात करतां.

सावंत - सायब, आमी वयर तांच्या आफिसांत वचूंया. थंय भरपूर सुवात आसा.

पिसो - नाका. तें बंडखोर काय आकांतवाद्याचें प्रकरण हांगांच घडलेलें न्हय? हे कचेरेंत? हेंच मूं ते नामनेचें जनेल जातूंतल्यान पडून तो मेलो. म्हणटकीर म्हाका हांगांच बसून काम करपाक बरें पडटलें. सुपरीन्टेन्डेन्टाक बेगीन रकाद धाड.

सावंत - हवालदार, सुप्रिटेन्ड सायबाक बेगीन आपोवन हाड.

पिसो - ताका ताबडतोब ज्या इज्या उर्जेंत आसा तसोच यो म्हणचें. (इन्स्पे. सावंत फोन उखलता) सावंतण फोन कोणाक लायता?

सावंत - सायब, सकयल क्रायम ब्रान्चींत इन्स्पेक्टर देसायाक फोन करून आपयतां.

पिसो - शे शे! देसायाविसायाची क्यांयच गरज ना हांगां-

सावंत - पुण सायब, एक इन्क्वायरी पयलीं जाल्ली ताच्यो सगल्यो फायली तुमकां जाय पडटल्यो न्हय?

पिसो - तांचीय तशी काय गरज ना. फोन सकयल दवर. पयले इन्क्वायरेच्यो फायली हांव घेवन आयलां. (सुपर. वालावलकार टणटणत येता. हातांत दांडो -)

सुप. - मालक्रियाद, मेर्द - कबुल जायना. वदना. सोडचोंच नाशिल्लों हांव फोद्रेच्याक.

सावंत - सायब-

सुप. - खबर आसा वयर कोणाची इन्क्वायरी करतालों ती? तो मालांद्र, चार फावटीं बंदखणींतल्यान पळ्ळा. आतां भुरग्याकं घेवन पळ्ळा. कसोच सोडपाचों नाशिल्लों ताका. पुण हो हवालदार रकाद घेवन आयलो.

सावंत - सायब - हें पळयात

सुप. - सावंत! किद्याक रकाद धाडलो वयर? कोणाचें मडें पातळ्ळां हांगां?

सावंत - सायब, सायब - सायबानू?

सुप - आत्तां वाटेर इन्स्पेक्टर देसाय मेळ्ळो - फर्स्ट एड घेवपाक वतालो. सावंत - सामकें नाक चेंचला तुवें ताचें.

सावंत - सायब, बापूय वयर काडलो म्हजो ताणे.

सुप. - भेसबरें केलें.

सावंत - सर, त्याभायर थुकलो तो म्हज्या तोंडार.

सुप. - आनीकूय बरें जालें. आरे ताचे नाक चेंचावपाक काय बरो म्हूर्त तुवें सोदून काडलो तर! आरे वेळ कसली, काळ कसलो! पयलींच आमी त्या आकांतवादी प्रकरणांक लागून त्रासांत पडल्यात - वर्तमानपत्रां सदां उठून आमची ताशीत आसतात आनी अशा वेळार तुमी एकामेकाच्या हड्ड्यार चडून बसतात? नांकां चेंचायतात?

सावंत - सायब. पुण ताणे अर्शे सरळ येवन म्हज्या तोंडार.

सुप. - थुकप ? थुकलो! तोडार तुज्या! बरें आतां आनीकूय पानपट्ट्यो खायात आनी पिचकाऱ्यो मारात एकामेकांचेर थुकात. रंगपंचम मनयात. थोड्याच दिसांनी तें इन्क्वायरीचें लचांड सुरू जातलें...

सावंत - सायब-

सुप. - तो म्हातारो जज्ज बांगरबैलावरी बसतलो येवन हांगां. गाढवा भाशेन नाका तसले प्रस्न विचारतलो भांचोद! मागीर हालयात

तकल्यो नाजाल्यार आणकुल्यो घणसाबैला भाशेन्न! आरे, किर्ते आडायलां रे हें!

सावंत - सुप्रिटेन्डसायब, शांत जायात, शांत जायात.

सुप. - हो कोण आनी गाढव हांगां आफिसांत बसला? धांवडाय ताका.

हवालदार - सायबानू, आयकून तरी घेयात!

सुप - चूप, तोंड बंद कर तुजें. आरें, हे आफिस आसां, भंगसाळ न्हय लाकूड चिरपाची?

हवा - सायबानू! सायब!

सावंत - सायबानूं, हे जस्टीस विश्वासराव चौधरी - जज्ज हायकोर्ट...

सुप. - किर्ते?

सावंत - हय सायब - हे जुईज!

सुप - म्हणजे, हे दुसरे इन्क्वायरेखातीर आयल्यात बी काय किर्ते?

सावंत - हय सायबनू!

सुप. - मागीर सावंत, हे पयलींच सांगपार्चे न्हय?

सावंत - सायब, हांव ह्या... हांव...

सुप. - सावंत, हांव हांव किर्ते करता? यूजलेस्! दरेक सुवातेर तूं म्हाका त्रासांत उडयता. (पिश्याकडे वळून) सर, आय ॲम सॉरी, व्हेरी सॉरी. हांव, हांव, सुपरिन्टेन्डेन्ट वालावलकार.

पिसो - चलात तर आतां सुपरिन्टेन्डेन्ट! कामाक सुरवात करूया. पयली काम. ड्यूटी फर्स्ट, दॅट्स् द डिसीप्लीन, शीस्त! शीस्त म्हत्त्वाची आनी गरजेची -

- ही इंटर्रोगेशनाची फायल - पान नं २५ - बंडखोर वा आकांतवादी. रावपी कांसावली. वेवसाय : रेल्वेंत सिर्विस. आरोप - सांवर्डे स्टेशनांत उब्या आशिल्ल्या २७ डावन मिरज रेल्वेंत बॉंब दवरलो आनी मडगांवच्या बॅंक ऑफ इंडियाच्या मेयन आफिसांत स्फोट घडयलो. दोनायकडच्या स्फोटांनी १७ मनीस खलास, ४० दुखवले.

सुप. - करेक्ट!

पिसो - फुडें तुमी तो स्टेटमेंट दिला की हो रेल्वे कर्मचारी आकांतवादी आशिल्ल्लो. स्फोट प्रकरणांत हो दुबावीत गुन्यांवकार.

सुप. - सुरवेक अशेंच दिशिल्लें.

पिसो - तुजेकडेन तसो पुरवो आशिल्लो ?

सुप. - हय. तो रेल्वे कर्मचाऱ्यांच्या युनियनाकडेन संबंद दवरून आसलो. लेफ्टिस्ट संघटनांच्या जायत्या लोकांकडेन ताजी इश्टागत आशिल्ली.

पिसो - मध्यानरातीर ह्या मनशाची इन्क्वायरी चालू आसतना ताणे सामके बेजारिल्ले मनाअवस्थेंत स्वतःक जनेलांतल्यान शेंवटिलो आनी तो सकयल रस्त्याच्या फुटपाथार पडून मेलो.

सुप. - रायट्!

सावंत - एक्झॅक्ट्ली!

पिसो - बेजारिल्ली मना अवस्था म्हणजे किर्ते ?

सावंत - म्हणजे, म्हणजे एक्झाक्टली - वासपूस चालू आसली त्या वेळार तो वाजेल्लो, खर्शेल्लो आनी निर्शेल्लो.

पिसो - आनी ताणे जीव दिलो.

सुप. - येस् सर, येस् सर! येस्!

पिसो - ताजी ही मनास्थिती अशी कित्याक लागून जाली हें आमी पयलीं तपासून पळोवंचे पडटलें.

सुप. - येस् सर!

पिसो - चलात तर - रातीकडे किर्ते जालें, किर्ते किर्ते घडलें - सगलें बारीकसारीक गजाली सयत परतून तशेंच करून पळोवया - म्हळ्यार नाटक, घडून गेल्ले नाटक - खरेले नाटक. सुपरिन्टेन्डेन्ट, तूं दाराभायर.

सुप. - थँक् यू सर - हांव ह्या नाटकांत ना मूं तर ?

पिसो - ना. पुण ह्य नाटकाचो हिरो तूं. सध्या तुवें भायर वचपाचें, आनी रोखडीच तुवें तुजी ती सुप्रसिद्ध एन्ट्री घेवपाची.

सुप. - सायब, ते रातीकडे हांवें कसलीच कंट्री घेवंक नाशिल्ली.

पिसो - सुपरिन्टेन्डेन्ट, कंट्री न्हय, एन्ट्री, एन्ट्री नाटकांतली. तर सुपरिन्टेन्डेन्ट भायले पैसेजींत. हावं तो रेल्वे कर्मचारी म्हणून. सावंत, तो रेल्वे कर्मचारी खंय बशिल्लो ?

सावंत - सायब, तो हांगांसर, हांगां ह्या कदेलाचेर बशिल्लो.

पिसो - तर आतां स्टार्ट - नाटकाक सुरवात. तिसरी घांट जाली.

हवालदार - सायब, हांव ह्या नाटकांत ना तर? म्हाकाय घेयांत मूं. म्हाका नाटकाची खूब उमेद.

पिसो - हवालदार राणे, तुजी सुवात घे. खंयसो आशिल्लो तेन्ना तूं?

हवाल - कपाटा म्हऱ्यांत आसलों हांव. (पोझ घेता) अशेंच पोझिसांव आसलें म्हजें. ओ. के.? सारकें आसा मूं सायब?

पिसो - स्टार्ट.

हवालदार - सायब, पोझ मातशी बदलल्यार जाता?

पिसो - आरे बाबा जाता - पोरखेळ न्हय हो - सिरियस इन्क्वायरी सुरू आसा, इन्क्वायरी. स्टार्ट, स्टार्ट आतां. (मातशी शांतताय) आरे सुपरिन्टेन्डेन्ट, एन्ट्री घे - हवालदार सुपरिन्टेन्डेन्ट भायर कितें करता पळोवन यो.

हवालदार - (भायर वता वतां) सायब, खंय गेले तुमी ? नाटक सुरू जालां, प्रेक्षक तिष्टतात - अवो सायबानूं? (सुपरिन्टेन्डेन्ट धावत येता)

सुप - कितें जालें?

पिसो - आरे, एन्ट्री घेवपाची आसा तुवें, विसल्लो?

सुप. - सॉरी सर. दाराभायर गेलों तेन्ना तो कवळेकार आदळ्ळो म्हाका. उलयत उलयत फुडें पावलों. ताच्या प्रमोशनाचें मातशें लफडें जाला.

पिसो - तो कवळेकार वचूं फोंडांत. हांगां इन्क्वायरी चालू आसा. परतोय भायर वच आनी एन्ट्री घे.

सुप. - (भोंवर मारून येता) हांव आयलों!

पिसो - खंय?

सुप. - भितर.

पिसो - आयलो मरे? मागीर आतां उलय. उलय तुगेले डायलॉगूस्!

सुप. - अवचिंदा, आमच्या दोळ्यांत धुल्ल उडोवन आमकां फटोवंक सोदता?

पिसो - रिपोर्टांत बरयल्यात तीं वाक्यां नाकात. खरें खरें कितें घडलें? तूं त्यावेळार एक्झाक्ट्ली कितें उलयल्लो? (सुप. परतोय

भोवर मारून तरतरायत येता)

सुप. - भांचोदा, फोद्रेच्या, आमकां चुतिये करपाक सोदता? २७ डावन ट्रेनींत बॉब कोणे दवल्लो? सांग पयलीं कोणे तो? तुवेंच मरे? आमकां खात्री आसा. तुवेंच तो. पुरावोय आसा आमचेकडेन.

पिसो - पुरावो आशिल्लो तुमचेकडेन?

सुप. - नाशिल्लो.

पिसो - मागीर पुरावो आसा अशें कित्याक म्हणिल्लें?

सुप. - तीं आमची इन्वेस्टिगेशनची पद्धत.

पिसो - बरें आसा. गुड - व्हेरी गुड.

सुप. - त्याभायर आमकां खात्रीय आशिल्ली, गुन्यांवकार तोच म्हणपाची.

पिसो - खात्री? कित्यावेल्यान?

सुप. - रेल्वेंत जाल्ल्या बॉंबस्फोटा फाटल्यान दावे संघटनेचो हात आशिल्लो. युनियनाच्या मनशांचोय तिका पालव मेळटालो. दावे संघटनेंतल्या जायत्या लोकांकडेन ह्या कर्मचाऱ्याची इश्टागत आशिल्ली. त्याभायर तो रेल्वेंत सिर्विसेक आशिल्लो. तोय बी मडगांव सारकिल्या म्हत्वाच्या स्टेशनार.

पिसो - वा! म्हणजे रेल्वेगाडयेंत बॉम्बसफोट जालो जाल्यार रेल्वे कर्मचाऱ्याक धरपाचो.

सुप - हय सायबा-

पिसो - विमानांत स्फोट जालो जाल्यार पायलटाक धरतले.

सुप. - हय सायबा-

पिसो - फाल्या समज राष्ट्रपतीभवनांत स्फोट जालो जाल्यार, राष्ट्रपतीक अरेस्ट करतले? म्हाड्डू भोमकाराल्या गोठ्यांत जर फाल्या स्फोट जालो जाल्यार कोणाक धरतले, म्हाड्डूक, रेड्याक काय म्हशीक?

हवालदार - म्हाड्डू आनी रेडो दोगूय सारकेच. म्हाड्डू- रेड्डू पोक दिफेरेन्सा!

पिसो - शट् आप! कित्याय कितें उलोव नाकात. हांगा इन्क्वायरी चालू

आसा. फुडें तुंवे रिपोर्टींत बरयला. आमचे आरोप आयकून रेल्वे कर्मचारी हांसलो.

सावंत - ह्य सायबानूं- तो हांसतालो खरो.

पिसो - कित्याखातीर हांसतालो जायत तो? तुमी ताचेर केल्ले आरोप पिसायेचे दिसताले म्हणून तो हांसतालो. हय मूं?

सावंत - जायत घडये. तशेंय आसूं येता. पुण तो हांसतालो इतलें मात खरें.

पिसो - बरें आसा. तो हांसतालो. जाल्यार मागीर हांसतां हांसतां अचकित ताची मनावस्था कित्याक इबाडली? ताणे बेजारून जनेलांतल्यान हुडकी कित्याक माल्ली? (सतब्धताय)

सांगात, सांगात बेगीन. हांसता हांसतां देरेपेंत ताणे जनेलांतल्यांन हुडकी कित्याक मारली? ताका कोणे कसलो भय घाल्लो? हांव जाणां, गुन्यांव वदोवन घेवंचेखातीर संवसारांतले सगले पुलीस तरातरांच्या पिडापिडीचो उपेग करतात. सांगात- कितें घडले ते रातीकडे? (शांतताय)

हांव सांगू कितें जालें तें? तुमचे आरोप आयकून तो हांसलो. सुपरिन्टेन्डेन्ट, तुका ताची भिरभिरी मारली. तूं फुडें सल्लो आनी तुंवे ताका म्हणलें : 'आमचेकडेन पुरावो आसा, तू दावे संघटणेचो वांगडी आसा. आमी ही गजाल तुज्या खात्याक कळयतले. सरकारी सिर्विशीतल्यान तुका धांवडायतले. तुजीं बायलभुरगीं, संवसार, उबतं पडटलो, तुंय बंदखणींत पडटलो.' हें आयकून तो नेमलो- निर्शेलो. थरथरूंक लागलो आनी ताणे फटायंचकरून जनेलांतल्यान भायर हुडकी मारली.

सावंत - ना ना सायब. ताणे फटांयच करून हुडकी मारली ना.

पिसो - बरें आसा, फटायंच करून न्हय. मागीर कशी आनी केन्ना माल्ली?

सावंत - सायब ताणे हुडकी मारली तेन्ना हांव हांगां नाशिल्लों.

सुप. - सावंत, कोणाक फटयता, तूं हांगांच आशिल्लो.

सावंत - सायब खऱ्यांनींच हांव नाशिल्लो.

पिसो - मागीर, त्यावेळार तूं खंय गेल्लो तर ?

सावंत - हांव सिगार हाडपाक गेल्लों.

सुप - सावंत, तू केन्नाच सिगार ओडीना. हांव जाणा. तूं हांगांच आशिल्लो. ताणे हुडकी माल्ली तेन्ना तूं व्हेरीमच हांगां आशिल्लो.

पिसो - सांगात, सांगात, खऱ्यांनीच किर्ते घडलें ? नाटक, नाटक.

हवालदार - सायब. ह्या नाटकांत म्हाका हिरोचो पार्ट. हांव सांगतां. म्हणजे, आमी लोकांनी त्यावेळार आयडिया केली. हांवें भायल्यान एन्ट्री घेतली आनी म्हणलें ? 'सावंत तुमकां फोन' आयला.

पिसो - खऱ्यांनीच फोन आइल्लो सावंताक ?

हवालदार - ना, ना. आमी तें नाटक केल्लें.

पिसो - चलात तर- नाटकाचे नाटक.

हवालदार - (सामको उमेदीन भायल्यान धांवत येता) सायब, तुमकां सावंतवाडच्यान अर्जन्ट फोन आयला.

सावंत - मातशे रावात आं- हांव फोन घेतां. (परतो येवन) आरे हवालदार, खंय आसा फोन ?

सगले - नाटक, नाटक.

सावंत - सॉरी (क्डेक सरून येसाय मारता) आत्तांच सावंतवाडीचो फोन आशिल्लो. आतांच फोन आशिल्लो सावंतवाडी पोलिस स्टेशनाचो. (एन्ट्री घेता) आत्तांच सावंतवाडी आसलो- फोन स्टेशनाचो.

हवालदार - (हांसता) चुकलें, चुकलें- सायबानूं चुकलेंच तें.

पिसो - शूऽऽ ! सावंत, सांग तूं, थांबूं नाका.

सावंत - तुज्या त्या कोलवाळेच्या बंगाली इश्टाक अटक जाल्या पळून वतालो तो.

पिसो - हो कोलवाळचो ईश्ट कोण ?

सावंत - ताचो एक बंगाली ईश्ट आसलो. पल्लवदास नावांचो. कोलवाळे रावतालो. दोगांयचें एकामेकागेर येवपवचप जातालें. पल्लवदास रस्त्यावेलीं नाटकां, स्ट्रीट प्लेयूज, बी

करतालो. तो एके दावे संघटनेचो ॲक्टीव्ह वर्कर आशिल्लो.

पिसो - वा, सावंत- बरीच म्हायतती पुंजायल्या तुवें गो ऑन्...

सावंत - 'पल्लवदासाक धल्ला. सगलें गुन्यांव मान्य केल्यात ताणे.''

पिसो - कितें ? ताणे गुन्यांव मान्य केल्ले ?

सावंत - तूं आनी पल्लवदास- दोगांयनी पोतयेंतल्यान बॉम्ब व्हेलो - दनपरा लंच टायमाक तूं ताका फोंड्यां मेळ्ळों. थंयच्यान दोगूय मडगांवां बँक ऑफ इंडियात गेले. बॉंब थंय दवल्लो. तू परतो आयलो. स्फोट दनपारां पावणे दोन वरांचेर जालो.

पिसो - ही सगली गजाल खरी आसा ?

सुप. - ना. हें, हे नाटक आशिल्लें.

पिसो - तुमच्या नाटकाचो ताचेर कितें परिणाम जालो ?

सुप. - तो भिंयेलो.

पिसो - आनी ताणे फट् करून जनेलांतल्यान हुडकी मारली.

सावंत - ना, ना, तशें जालें ना.

पिसो - मागीर ?

सावंत - ताणे म्हणलें- 'हांव ते दीस लंचटायमावेळार रायबंदरा मेवण्यागेर आशिल्लों. वांगडा रेल्वेंतलोच एक इश्ट म्हजेवांगडा आशिल्लो. हांव मेवण्यागेर जेवलों. म्हजेकडेन पुरावो आसा.'

पिसो - मागीर ?

सुप. - आमी म्हणलें, हें फट- हे तुजे गजालीत अर्थ ना.

पिसो - तो आपणाकडेन पुरावो आसा अशें म्हणटालो मू ?

सुप. - आमी पुरावो तपासून पळयलोच ना.

पिसो - कित्याक तपासलो ना ?

सुप. - सायब, आमचें चुकलें.

पिसो - तुमी एके मुलाखतींत म्हणलां ताचे आड आमचेलागीं पुरावो आशिल्लो. तो तसो सादो, सरळ, बरो मनीस आशिल्लो.

सावंत - सायब, सगळो गोंदळूच जाला. लोक तापले. लोकांनी निदर्शनां केलीं. प्रकरण हाताभायर वचूक लागले म्हणुनूच सत्य सांगचें पडले. सायब, आमची व्हडली चूक जाली.

पिसो - एका सरळ साद्या मनशाक धरप, ताका बंडखोर आनी

आकांतवादी थारावप- ताणेंच बॉंब दवरला अशें नाटक रचप. तुमचेकडेन कांयच पुरावे नात. तो सांगतालो तर ताचेकडले पुरावे तुमी तपासले नात. ताचे आत्महत्येक तुमीच जापसालदार- तुमी- तुमीच खुनी. तुमी आतां सुटनात. तुमी आतां हातूंत शिरकले, फारकले.

सुप. - सर, ही जाली पयली काणी.

पिसो - आं ? अशो कितल्यो काणयो रचल्यात तर तुमी ?

सुप - सायब, दुसरी एक काणी आमी रचून दवरल्या.

सावंत - ते काणयेंत- ताणे ॲक्चुअली जनेलांतल्यान हुडकी मारली तेन्ना आमी दोगूय भायर आशिल्ले.

पिसो - कितें उपेग ताचो ?

सुप. - सर, ती काणी तरी आयकात! आमी तातूंत मातूय सांपडनात.

पिसो - म्हणजे मुदलांत घडली ती गजाल वेगळीच- मागीर तांतूत तुमी तुमकां जाय जाय तशे बदल करीत गेले.

सप. - चड न्हय. थोडेभोव आसतले. फक्त वेळाचे बाबतींत बदल करचे पडले.

पिसो - म्हणजे ?

सुप. - मुळ गजालींत रातीकडे बारामेरेन इन्वेस्टिगेशन चलतालें. मागीर ताणे हुडकी मारली.

सावंत - पुण दुसरे काणयेंत आमी बेगीन म्हणल्यार रातीच्या आठ वरांचेर इन्वेस्टिगेशन थांबयलें.

पिसो - मागीर ताणे हुडकी केन्ना माल्ली तर ?

सुप. - ताणे हुडकी चार वरांउपरांत म्हणजे रातीच्या बारांकूच मारली.

पिसो - आठ वरांचेर कित्याक माल्लीना ?

सुप. - सायब, हुडकी बारां वरांचेरूच मारली. आतां तातूंत कांयच बदल करूंक मेळनात. कारण, ताका बारां वरांचेर हुडकी मारतांनां कांय लोकांनी पळयला.

सावंत - हवालदार- बेगीन. ते दुसरे काणयेची फायल हाड.

हवालदार - सायब, दुसरे काणयेचो पयलो वांटो काय दुसरो ?

सावंत - हवालदार - बेगीन. (हवालदार फायल दिता)

हवालदार - सायब ही घेयात काणी दुसरी, भाग पयलो.

सुप. - सायबानूं हे गजालीचो सार असो : आमी रचिल्ल्या नाटकाचो आनी ताचे आत्महत्येचो कांयच संबंद ना. वासपूस आनी उलटतपासणी आठांक सोंपली, पुण हुडकी ताणे बरांक मारली. मदल्या चार वरांत आकांतवादी पुराय थाऱ्यार आयिल्लो.

सावंत - हांगा स्पष्ट बरयलां सायब. सुर्वेक निर्शेल्लो आकांतवादी ल्हवुल्हवू करून सांवरूंक लागलो. तो खूप खोशी, आनी उमेदीर आशिल्लो. ताका खोश्येन खातनकुतल्यो लेगीत जाताल्यो, तो मुरगट्टालो.

सुप. - आमी ताका कोलवाळच्या पल्लवदासाची खबर सांगली पुण ताचेर ताचो कांयच परिणाम जाल्लोना.

पिसो - कारण ताका खबर आशिल्लें हे सगलें फट आनीं निव्वळ एक काल्पनिक नाटक म्हणपाचें.

सुप. - एक्झाक्टलीं-

पिसो - मागीर तुमी अशे धडधडीत फट कित्याक उलयले ?

सुप. - ताका शॉक बसचो म्हणून.

पिसो - मागीर ? बसलो तर ताका शॉक ?

सुप. - हय.

पिसो - शॉक बशिल्लो मनीस उमेदीन मुरगट्टा, हांसता ?

सुप. - सायब, ताका उमेद जाल्ली खरी.

पिसे - जाल्यार ताणे जनेलांतल्यान भायर हुडकी कित्याक मारली ? (स्तब्धताय) तुमचे पयले काणयेंत हुडकी मारचे पयलीं ताची मनस्थिती निर्शेल्ली, उद्वीग्न आसा.

सावंत - हय सर.

पिसो - दुसरे कायणेंत ही निर्शेणी वचून तो हुडकी मारचेपयलीं हांसूंक, मुर्गटूंक लागलो. शी, शी, शी. असल्या ओर्दिनार, थर्ड रेट काणयांपरस हिंदी सिनेमांतल्यो काणयो जायत्यो बऱ्यो आसतात.

सुप. - सायब, आतां कितें करचेले ? जजसायब आमकां सांबाळून

घेवचेलें.

सावंत - सायब, आमकां मात्सो पालव दियात. तुमीच हांतूतल्यान वाट दाखयात.

पिसो - म्हाका सरकारान हांगां कित्याखातीर धाडलां ?

सावंत - कित्याखातीर ?

पिसो - पिशांभाशेन करण्यो करून तुमी पुलीस खात्याची अब्रू होगडायल्या, सामकी मातयेभरवण केल्या. तुमीच तुमच्या खात्याक बदनाम करून उडयलां. गृहमंत्र्याची म्हाका स्ट्रीक्ट ऑर्डर आसा. हे दुसरे इन्क्वायरेंत तुमकां सारकी बाजू मांडूंक जाली ना जाल्यार-

सावंत - जाल्यार किर्ते सायब ?

पिसो - तुमकांच सरकार बुद्द शिकयतलो. तुमकां जियेवप नाका जातालें.

सावंत - आमी इतलीं वरसां मरून सेवा केली खात्यांची आनी-

पिसो - सावंत- आरे कोण विचारता तुमचे सेवेक हांगां ? तेवटेन लोक संतापल्यात. ते गृहमंत्र्याचो राजिनामो मागूंक लागल्यात. तांचें कदेल संकष्टांत. तुमकां निखळायले म्हण्टकच लोक थंड जातले. गृहमंत्र्यांचे आसन मागीर घट. राजकारण हें बाबा, राजकारण.

सुप. - वेंचुणुको लागीं पावल्यो म्हणटकच आमी गोरवांवरी मरसर काम करप. एकसारक्यो वयल्यान ऑर्डरी येत आसतात.

पिसो - कसल्यो ऑर्डरी ?

सुप. - ह्योच : समाजांत गोंदळ- खवदळ निर्माण करपाचो- सामान्य जनता बेजार जावपाक जाय- धुमशेणां कांडूंक जाय जनतेन.

पिसो - करॅक्ट ! म्हणजे विरोधी पक्षाक बदनाम करून वेंचणुको जिखप सोपें जाता. वा परिस्थिती हाताभायर गेली म्हुण निमित सांगून इमर्जन्सी लावपाक हे तयार- राजकारण सगलें कुसलां, सडलां, ताका किडे पडल्यात.

सुप. - सांगात जुईजसायब, अशे आवतिकायेंत आमी कितें करपाचें ?

सावंत - गरीब दुबळे सरकारी चाकर आमी- आमी आतां कितें करप ?

पिसो - उठात, उठात. तुमचीं पिस्तुलां बरीं धोंगसून भरात. लाठ्यो, तोंडके घट धरात. आवाज लायात- घुरयो घालात, तुटून पडात- सामान्य, गरीब जनतेचेर निश्पाप, निरपराध लोकांक बडयात, धोडायत रावात. दंगलखोरांक मेकळे सोडात. बाबड्या बायल भुरग्यांचेर फार पेट्यात. लांचखोरांक, ब्लॅकमार्केटियराक, दुखोवं नाकात. स्मग्लरांकडेन इश्टागत वाडयात. उठात, उठात, कामाक लागात.

सावंत - सायबानूं, आमकां वाट दाखयात, तुमीच आमकां वाटायात -

पिसो - हातूंतल्यान वाट आसा. एकूच मार्ग आसा. (जनेल उगडटा) मारात, मारात, हुडकी हांगाच्यान.

सावंत - कितें ?

पिसो - रावू नाकात, थांबू नाकात, वेळ होगडावं नाकात. ही पळयात जनता दोळे मोटे करून तुमचेकडेन पळयता. काबार तुमी आतां, सामके खलास. ज्या समाजांत आजवेर झेतान, उजळ माथ्यान भोंवले, त्याच समाजांत आता इतली बदनामी सोंसून जियेतले ? इश्ट थुकतले तुमच्या तोंडार-

सावंत - इन्स्पे. देसाय एदोळूच थुकलो म्हज्या तोंडार.

पिसो - सावंत, एकूच मार्ग आसा- सावंत हुडकी मार, फट् करून हुडकी मार आनी स्वतः सुटका करून घे.

सावंत - (देवाचें नांव घेता) सोसूंक जायना, सहन जायना सायब आतां हें सगळें. याद दवरात म्हजी, हांव चल्लों. (तो जनेलाचेर चडटा)

सुप. - सावंत, म्हजें आयक, फाटीं सर.

सावंत - ना, आतां फाटीं सरप ना. बंदखणींत खडी फोडचे परस हे बरें.

सुप - सावंत, पाशिएस काड मातशें, मेळटली कितेंय पुण वाट-

सावंत - नाका सायबानूं, आतां आनीआनीक कांयच जावपाचें ना. हांव चल्लों, म्हज्या बायल भुरग्यांचेर मातशी नदर दवरात. (सावंत जनेलांतल्यान हुडकी मारता पुण जनेलाक हुमकळत रावता.)

सुप. - मेळ्ळो, सायब मेळ्ळो.

पिसो - किर्ते मेळ्ळो ?

सुप. - सुटपाचो मार्ग मेळ्ळो. आतां तिसरी एक काणी रचप. सायबान्नूं, तुमीं आमकां मातसो पालव दियात. कायद्या बियद्याचें किर्ते म्हणटात तें तुमी पळोवपाचें. सावंत, सावंत, सकयल देव.

हवालदार - सावंतसायब, बेगीन भितर येयात. सुप्रन्टिन्डसायबांक तिसरी काणी सुचल्या. (सावंत हवालदाराचे मदतीन भितर येता, थरथरत उबो रावता)

पिसो - प्रेक्षकांनूं, मातशे रावात, थार धरात. आतां तिसरी काणी आकार घेता. बारीक साणीन आयकात- आतां आमी सगल्यांनी मेळून काणी रचपाची. म्हाका सगल्यांचो आदार जाय. काणी सामकी खरेली, जिती जिवीशी दिसूंक जाय. आमी पयलीं सामके रेड्यावरी उलयले. तातूंतलें आतां एकूय अक्षर बदलूक मेळपाचें ना. कारण रिपोर्ट वयर पावला ऑल्रेडी. आतां तातूंत फक्त अदींमदी कांय सुवातो सुचोवपाच्यो.

हवालदार - भियेवं नाकात सायब, काणयेचे आमचेर सोंपयात.

सुप. - हवालदार, मात्सो ओगी राव. तर, इन्क्वायरी आठ वरांचेर सोंपली आनी ताणे उपरांत बारा वरांचेर हुडकी मारली. आतां प्रस्न आसा तो फक्त मदल्या चार वरांचो. ताका खोशी करपाचो, उमेदीर हाडपाचो. ताचे हुडकेखातीर फावोशीं कारणां दिवपाचो. लक्षांत दवरात, आमचो तातूंत कसलोच संबंद दिसूंक फावना.

पिसो - रातचीं आठ वरां जाल्यांत, मुखावेले वणटीवेले घड्याळींत आठांचे ठोके वाजले.

सुप. - बरोबर.

सावंत - आरोप आयकून तो-

पिसो - हांसलो काय भियेलो ?

सावंत - हांसलो नाका. कित्याक ? हांसलो एदोळचे पयले काणयेंत

जालें. हे काणयेंत आरोप आयकून तो थरथरूंक लागलो, ताचें तोंड धवें जालें. तो सामको निर्शेवन झेमलो.

सुप. - फुडें ? फुडें कितें ?

पिसो - तागेली ती दशा पळोवन, तुमकां भरून आयलें- तुमच्या दोळ्यांत दुकां देवंली.

सुप - दोळ्यांत दुकां, हे, हे...

पिसो - सुपरिन्टेन्डेन्ट, तुमच्या दोळ्यांत उदक आइल्लें. आतां तें मान्य करपाक तुमकां लज दिसता.

सुप. - ना, ना.

पिसो - हवालदार, सुप्रिटेन्डसायबाच्या दोळ्यातं दुकां आइल्लीं. काय ना ?

हवालदार - आयिल्लीं सायब. ताची ती आवतिकाय पळोवन सायब रडटाले, आनी सायबांचीं दशा पळोवन हांवूंय हांबेंवक लागलों.

पिसो - पळय, पळय, सावंत, तुजें कितें ?

सावंत - म्हजें कितें ?

पिसो - तुजे व्हडले सायब रडूंक लागल्यात, हवालदारूय हुडकेवन हुडकेवन हाबेता. तें पळोवन तुकाय कळवळून रडूंक आयलें काय ना ?

सावंत - हॅ, हॅ, हांव - हांव कित्याक रडटलों ?

सुप. - हय सावंत, तूंय रडलो, रडलोच.

हवालदार - हय सावंतवायब, तुमीय रडटाले. (सावंत आतां रडूंक लागता)

पिसो - आतां ही रडारड पुरो. काणी रंगोवपाची आसा, फुलोवपाची आसा. रातचीं आठ तें बारा हो चार वरांचो वेळ भरून काडपाचो आसा. चार वरां तुमी कितें रडत रावतले ?

हवालदार - बरोबर सायब - हे काणयेंत म्हाका आतां एक म्हत्वाचो पॉइन्ट सुचता.

पिसो - कितें ?

हवालदार - हे कुडींत ही अशी आमची रडारड चलिल्लेकडेन. हे

रडटात, ते रडत आसात, हांवूंय रडटां. मागीर हांव दोळे पुशीत सकयल वतां. ताजेखातीर हुनहुनीतशीच्या आनी बटाटवडे हाडटां.

पिसो - वा, वा! ग्रेट हें उपकारता -

सुप. - ताणे बटाटवडो खालो - तो च्या पियेलो, आनी तो हांसलो, तो हांसलो. आनी हांव भायर गेलों.

सावंत - ना, ना, सायब, तुमी हांगांच आसात.

सुप. - ताणे बटाटवडो खालो, तो च्या पियेलो आनी हांव चार वरां हांगांच बसुन कितें करूं?

पिसो - आमी ताका त्रास दिलो, ताका पिडापीड केली. ताची ती आवतिकाय पळोवन सुपरिंटेंन्डेन्ट, तुमचीं दुकां थांबना जालीं.

सुप. - हय व्हय. म्हाकाय थोडें भोव वायट दिसलें.

पिसो - तूं फुडें सल्लो, आनी तुवें ताचे फाटीर हात भोंवडायलो.

सुप. - ना, ना, असली म्हाका याद जायना.

पिसो - हय मूं, हवालदार?

हवालदार - सायब, हांवें पळयलां. हे अपुरबायेन ताका सांसपिताले.

पिसो - आतां इन्स्पे. सावंत, तूं फुडें सल्लो आनी ताच्या केसांतल्यान हात भोंवडायलो.

सावंत - ना, ना, हांवें असलें कांयच करूंक ना. त्या अवचिंदाच्या.

पिसो - सावंत, तुका कळना कशें -

सावंत - कितें तें?

पिसो - तो फक्त एक आरोपी नाशिल्लो. रेल्वेकडेन संबदीत आसलो तरी तो एक हाडामासांचो, उमाळे, भावनांनी भरिल्ल्या अंतस्कर्णाचो मनीसूय आशिल्लो.

हवालदार - हय सायब - हांवें पळयलां - हाणी ताच्या केसांतल्यान हात भोंवडायलो.

पिसो - आनी सावंत - हात भोंवडायतां भोंवडायतां तुवें त्या मनशाक म्हणले : 'गुंडू - असो निर्शेव नाका. जे कितें घडलें ते सगलें विसर आतां.'

सावंत - हे मात फट, सामकें फट. हांवें असलें कांयच...

पिसो - तशें जाल्यार मागीर फोंडांत वचात. फोंडांत. हांव तुमचेखातीर म्हजें रगत हांगां आटयतां, काणी रचतां, म्हाका कसली गरज? मरात, मरात तुमी आतां.

सावंत - बरें आसा सायब - हांवें तशें म्हणलें.

पिसो - आनी तुमी सगले गावपाक लागले.

सावंत - कितें?

पिसो - हय व्हय. तुमी सगले गावपाक लागले.

सुप - हॅ हॅ. हें कशें जाव येता?

पिसो - कित्याक जाव नज? तुवें स्वतः फुडाकार घेतलो. वातावरण मात्शें ल्हव केलें, टेन्शन घालयलें. त्या आरोपीक धीर दिलो. ही पदाखातीर एक बेस्ट सिच्युएशन आसा. हांगां गावपाक कसलीच हरकत ना. सुपरिन्टेन्डेन्ट, मतींत घेयात, आठ ते बारा अशीं चार वरां आमकां सारपाचीं आसात.

सुप. - पुलीस स्टेशनांत गावप नाचप? हें बरोबर न्हय, हें आमकां सोबचेंना. अशें जावं नज.

पिसो - तशें जाल्यार मरात. मारात हुडक्यो जनेलांतल्यान.

हवालदार - सुप्रिन्टेन्ड सायब? जुईजसायब सांगतात जाल्या आमी इल्लें नाचगाणे करपाक हरकत कसली?

पिसो - आरे. तुमी लोक एक काणी रचतात. लोकांक ती खरी दिसना. मागीर तुमी दुसरी रचतात. तीवूय तांका पटना. लोक तापतात, खुबळटात. कारण तुमच्या काणयांनी फटींगपणां उपाट भरिल्ली आसतात. तुमच्या कथांनी मनीसपण नासता. तातूंत उमाळे, भावना नात, दुःख ना, उमेद ना. केल्ल्या पातकांचो सादो पश्चात्तापलेगीत ना. (अकस्मात कसलेंतरी संगीत वाजूंक लागतात. तीच संद घेवन गावपनाचप जाता) गायात, गायात, मरपी सामान्य लोकांखातीर गायन - सामान्य लोकांची पदां म्हणात. दाखोवन दियात लोकांक. पोलीसांचे चौकेपोंदायं उमाळे आसतात, भावनेची ओलसाण आसता. फटींगपणापोंदाय मनीसकाय, माणसुकी वसता.

(सगले ल्हवल्हव करून गावक लागतात आनी उपरांत कोरसारो नाचुंकूय लागतात. माचयेर जल्लोश)

पयलो अंक सोंपता

अंक २ रो

(पड्डो उगडटाना पयल्या अंकाचे अखेरेचे गावप - नाचप चालू आसता. रंगमाचयेर उमेदीचे वातावरण. सगले एकामेकांक शाबासकी दितात. स्वतःचेर खूब खोशी)

पिसो - (प्रेक्षकांक) तर लोकांनू- आमचो आरोपी सामको खोश्येंत आसा, मजेंत आसा. ताच्या आनंदाक ओतो आयला. ताची खोस मळबभर पातळ्ळ्या. ताच्या सामान्य जिवितांत केन्नाच ताचेखातीर कोण गायलो ना, नाचलो ना. आनी आयज अख्खें पुलीस स्टेशन ताचेखातीर उर्बेन गावंक लागलां, नाचूंक लागलां.

सावंत - इतली खोस ताका जिवितांत केन्नाच जावंक नाशिल्ली.

सुप. - ताका उमेदीन कातकुतल्यो जावंक लागल्यात.

हवालदार - आमचें गावप- वाजप- नाचप आयकून आनी पळोवन तो धादोशी जालो आनी पोटभर हांसलो.

सुप. - आमची इन्वेस्टिगेशन चालूच आशिल्ली. ताचेर आमी फटीचे आरोप करीत आशिल्ले पुण तांचो ताचेर कांयच परिणाम जालोना. तो काचाबूल जालोना, गोंदळ्ळो ना, घुस्पलो ना. सादो अस्वस्थलेगीत जालोना.

पिसो - मागीर ताचे उद्ववीग्न आनी निर्शेल्ले मनस्थितीचें कितें करपाचें ?

सावंत - हॅ, हॅ! आतां निर्शेणी बी म्हणटात ती कांयच उरूंक ना. तें मागीरचें मध्यान रातीर.

पिसो - चलात तर ! मध्यान रात! हवालदार-

हवालदार - सायब-

पिसो - मध्यानरातीची तयारी करात. (हवालदार स्टूलार बसता आनी थंयच झेमतां झेमतां न्हिदता. घोरेवंक लागता)

पिसो - हवालदार-

हवालदार - सायब-

पिसो - कितें चल्ला रे ?

हवालदार - मध्यानरात चल्ल्या सायब.

पिसो - मध्यान रातीर न्हिदो काडपाक तूं घराकडेन ना, ड्यूटेर आसा.

हवाल - तसो घराकडेन आसप आनी ड्यूटेर आसप हातूंत व्हडलोसो फरक ना.

पिसो - हांगां इन्वेस्टिगेशन चालू आसा. हवालदार मध्यान रात, हय व्हय. (सगळे मध्यानरातीचें वातावरण उबें करपाक लागतात. उजवाड डीम जाता. हवालदार रातकिड्यांचे आवाज काडटा. पिसो कुत्र्यावरी हालेट दिता. आनीक कांय शांततायेंतलेच आवाज करतात. घड्याळीचेर फावो तितले ठोके वाजतात)

हवालदार - सायब- मध्यानरात तयार आसा.

पिसो - हवालदार, रूमांत कोण कोण आसात ?

हवालदार - हांव स्वता, सावंतसायब, हे मोटे सायब आनी तो आरोपी-

पिसो - तुमी सगले हे कुडीतं कितें करतात ?

हवालदार - वासपूस, चौकशी, इन्वेस्टिगेशन, ऊर्फ इन्कवायरी.

पिसो - अजून, इतलो वेळ फक्त इन्वेरिटगेशनूच ? (व्हडाव्हडान ऐतिहासीक धाटणेंत) 'तूं अमक्या दनपरां खंय आशिल्लो ? तमके रातीकडे किते करतालो ? मालिक्रयाद, गांवांवेल्यो राटावळी करीत भोंवता- आमकां पिशे करता' आदी, आदी डायलॉग वयले पट्टेंत, संगीत इतिहासीक नाटकांतलेवरी आड्डून उलोवप- करून तुमचे ताळे पडले आसतले न्हय ?

हवालदार - ना सायब. वासपूस आनी उलटतपाशणी सामकी सकयले पट्टेत एकाद्या कौटुंबिक जिव्हाळ्याच्या नाटकांतले भाशेन चलताली.

पिसो - तुमकां मातूय पुरो जालेंना ?

सावंत - छॅ, ना.

पिसो - साद्यो हवापाणयाच्यो गजाली केल्यारूय मनशाक पुरो जावं येता आनी हांगां तर सामकी गंभीर उलटतपाशणी-

सुप. - ना हो, पुरोबिरो कांयच जालें ना. आमी सगले खोश्शी आशिल्ले.

पिसो - इतलें सांगून, दबकावून, सतत उलोवनूय कांयच फायदो

जायना तें पळोवन तुमी तापले आसतले, तुमचो तोल गेलो आसतलो, आनी तुमी आरोपीच्या मुस्कटार एक फुलयलें जातलें-

सुप - ना, ना, सायब- आमी आरोपीक हातलेगीत लावंक ना.

पिसो - म्हणजे तशें सामकेंच कानसुलार मारलें ना जायत पुण तिडकीच्या नेटार एकादें थापट तरी-

सावंत - ना सायब, आमी आरोपीच्या म्हऱ्यांतलेगीत गेले ना.

सुप. - तपासणी सामकी नेमाप्रमाण चालिल्ली.

पिसो - चड कांय ना. आरोपी सामको गोंदळ्ळा, तो बावचळ्ळा, मात्सो भियेल़ाय. (हवालदाराचे फाटीर हात दवरता) तुमी मोगान असो ताचे फाटीर हातूय दवरला आसतलो. (थापटितां थापटितां हवालदाराच्या पोटांत एक मुठ मारता. हवालदार कळवळटा.)

हवालदार - आवय गे, आवय, मेलों सायब.

सुप. - हें सामकें फट, हांगां कसलीच मारझोड जावंक ना.

सावंत - तपासणी सामकी मेकळ्या वातावरणांत, हांसत खेळत चलिल्ली.

पिसो - हांसत खेळत ? म्हणल्यार तुमी आरोपीवांगडा खेळटाले, ताका हांसयत आशिल्ले ?

हवालदार - हय सायबानूं- सावंतसायबाचो सबाव सामको फकाणेर-

पिसो - आरे वा! वा! तशें जाल्यार सावंत तूं मजेशीर ज्योक्सूय सांगतालो आसतलो.

हवालदार - तर हो! कितलेशेच ज्योक्स पाठ आसात तांकां. नकलोय करतात ते-आफिसांत हांसोवन हांसोवन आमची सामकी वाट लायतात.

पिसो - अशें ? वा! सावंत, आमकां एक ज्योक आतां सांग पळोवया. आमीय मात्शे आतां हांसूंया.

हवालदार - सांगात, सांगात सायब-एकादो बेस्ट कॉमेडी ज्योक! (सावंत ज्योक सांगता. सगले हांसतात.)

पिसो - हें, हें तुवें आरोपीक आयकयल्लें ?

सावंत - हय सायबानूं-

पिसो - म्हणटकच ताणे हुडकी मारून जीव दिलो हातूंत अजाप ना. सावंत- म्हाका सदांच अजाप दिसतालें- खंयच्याय पुलीस स्टेशनांत वतकीर भितल्ल्यान आह्यो, किंळची, बोबो आनी हुयेली आयकूक येतात. म्हाका दिसतालें- बाबड्या आरोपीकं पुलीस बडयतात आसतले म्हणून भितल्ले लोक दुखीन आह्वतात म्हणून- पुण आज कळ्ळें- पुलीस ताका ज्योक्स सांगतात, नकलो करून दाखयतात, हांसयतात आनी हांसतां हांसता खोश्येन बेहोश जावन लोक आह्वतात, किळांचतात. फाटीं स्टेशनात चवकशेखातीर एक बायलेक हाडलली- पुलीस ते बायले वांगडा खेळ्ळे, ज्योक्स केले, ते बायलेक हांसयली, आनी लोकांनी बॉब मारली की पुलीसांनी बलात्कार केलो. छॅ, छॅ ओगी कित्याय कितें.

सुप. - सायब, तुमी आमची फकाणां मारतात, मस्करी करतात.

सावंत - तुमी सांगले म्हणून आमी पदां म्हणलीं, नाचले, ज्योक्स सांगले. आमी दाखोवन दिलें की आमच्यांतूय मनीसपण आसा.

पिसो - सॉरी - आतां फकाणा नाकात. सिरियसली, सामकें गंभीरतायेन आमी कामाक सुरवात करूया-चलात तर मुळ म्हत्वाचो मुद्दो. ताणे जनेलांतल्यान हुडकी कित्याक मारली? हाचें कारण कांयच मेळना. आमी आतां परतोय विचार करूया.

सावंत - परतो म्हणजे कसो?

पिसो - तो जनेलांतल्यान कसो पडलो तें आतां पळोवया. तो असो हांगा कदेलार बशिल्लो आसा, हांसत-अकस्मात कितेंय पुण घडटा-तो आगांत भार आयिल्लेवरी उठटा, जनेला म्हऱ्यांत येता आनी हुडकी मारता-

सावंत - बरोबर-

पिसो - जनेलाइतले उंचायेमेरेन हुडकी मारपाची आनी स्वतःक वाऱ्यार मोखून मारप म्हणल्यार ताका स्टार्ट घेवपाक इल्लें धांवचे

पडटलेंच. हांगां तर कदेल आनी जनेल हांचेमदीं धांवपाइतली सुवातूय ना. मागीर आतां म्हाका सांगात. तुमच्यातल्या कोणें ताका भायर धुकल्लो ?

सुप. - ना, ना सायब- कोणेच त्या मालक्रियांदाक धुकल्लो ना.

पिसो - मागीर, एक साडेपांच फुट उंचायेच्या मनशान हे साहस कशें केले ? ताका कशें जमलें हें !

सावंत - कित्याक जमचेंना ?

हवालदार - सायबानू, हांव दाखयतां. तो हांगासर बशिल्लो. (कदेलार बसता)

पिसो - बरें.

हवालदार - तो अकस्मात उठलो. (हवा. उठटा)

पिसो - उठलो-मागीर ?

हवालदार - कितें घडटा तें कळचेआदींच तो सामको स्पीडीन धांवत सुटलो. (हवा. धांवता आनी जनेलाचेर हुडकी मारपाचो यत्न करता पुण आपटता आनी सकयल पडटा)

पिसो - ना, ना, खंयच्याच सामान्य मनशाक सर्कशींत काम केल्याबगर ही एदी उंच हुडकी मारप जमपाचें ना. तो पयलीं सर्कशींत बी आशिल्लो तर ?

सुप. - तो सामको शिटुक आशिल्लो. चपळ. ताच्यो हालचाली सामक्यो सफायदार आसल्यो. सामाको त्या ब्रह्मानंद गोलक्याभाशेन. टायगर पतोडी भाशेन. महंमद अझरुद्दीनाभाशेन. बेस्ट खेळगड्या भाशेन.

हवालदार - सायब, म्हाका एक आयडिया सुचल्या. अशी हुडकी मारप जमू येता.

पिसो - कशी ?

हवालदार - हो असो- तो हांगां बशिल्लो, अचानक तो उठलो आनी.

सुप. - (तिडकीन) हवालदार, आतां तो बसलो-उठलो-धांवलो कितलो वेळ परपरत तेंचतेंच पिशावरी उलयता ? तूं परतोय धांवत वतलो आनी वणटीक आपटून तकली फोडून घेतलो.

हवालदार - ना सायब- हो पॉयन्ट तरी पळयात मातसो- तो हांगां

बसला, हांसत. तो उठलो, धांवत सुटलो (हवालदार वांकडो तिकडो धांवत वता, कोनशाचें स्टूल जनेला म्हऱ्यान धुकलता आनी ताचेर उबो रावता. हें सगलें सामकें फास्ट. आनी हुडकी मारूंक करता)

सांव + सुप - हवालदार, हवालदार, आरे मरशीत.

सुप. - आतां नाटक बंद. तो आकांतवादी वचूं फोंडांत.

पिसो - आरोपी धांवलो, ताणे आफिसातंल्यान स्टूल सोडून काडलें. तें जनेलाकडेन मांडले आनी मागीर हुडकी मारली. हांगां त्या खिणाक तीन ट्रेन्ड पुलीस हाजीर आशिल्ले. तांच्या लक्षांत कशें आयलेंना की तो आत्महत्येची तयारी करता आसतलो. तेन्ना ताका तुमी कित्याक आडायलोना?

हवालदार - सायब- हांवें, हांवें आडायलो ताका. ताणे हुडकी मारपाक आनी ज्यूस्त हांव ताका धरपाक एकूच गांठ पडली. हांवें ताचो पांय धरलो. पुण म्हज्या हातांत फक्त ताचो बूट आयलो. तो सुटलो तो सुटलोच.

पिसो - वा! वा! व्हेरी गूड, गूड! एकदम म्हत्वाचो पॉयन्ट. हो इतलो म्हत्वाचो पॉयन्ट तुमी पयलींच कित्याक सांगलो ना? हवालदार- तुज्या हातांत आरोपीचो बूट, म्हणल्यार केदो व्हडलो पुरावो हो न्हय, तुमच्या फावोरार!

हवालदार - हय सायबा-

पिसो - हाचो अर्थ- तुमी ताका वाटावपाचो यत्न केलो. शाबास, सुटले, सुटले तुमी वेवस्थीत. वा- वा!

सावंत - (हवालदाराक शाबासकी दीत) वा, शाबास हवालदार. सामको बिनतोड मुद्दो. ह्या बुटाकलागून आमी नक्कीच सुटटांत.

सुप. - वा. हवालदार! तकली चलयली तुवें अखेरेक! शाब्बास! वालोर तुका.

हवालदार - थ्यांकू, थ्यांकू सायबानूं!

पिसो - (फायल चाळटा) माफ करात आं. एक ल्हानसो गोंदळ जाता हांगां.

सुप. - आतां आनीक कितें जालें?

पिसो - हो आरोपी तीन पायांचो बी नाशिल्लो मू?

सगळें - कितें? कित्याय कितें सायब-

पिसो - हांगां पान नं. ५ चेर हवालदार म्हणटा तशेंच बरयलां (वाचता) आरोपी जनेलांतल्यान हुडकी मारतासतना हवालदारान ताका आडावपाचो प्रयत्न केलो. ताका धरपाची ट्राय केली पुण त्याच्या हाताक आरोपीचो फक्त बुटूच लागलो.

सगले - करेक्ट!

पिसो - आतां फुडें पान नं. १६ चेर बरयलां- आरोपीचे मेल्ले कुडीचो सकयल फुटपाथार चारचौगांसमक्ष पंचनामो जालो तेन्ना ताच्या दोनाय पायांत बूट आशिल्ले. म्हणटकच जाता अशें, सकयल आरोपीच्या दोन पायांक दोन बूट आनी वयर हवालदाराच्या हातांत एक बूट- दोन पायांचो मनीस आनी बूट मात तीन-

सुप. - हें सगले येडझवें विचित्र चिकचिकीत जालें प्रकरण.

सावंत - हें आतां कशें निस्तारावप तेंच कळना.

पिसो - आरोपी चवथ्या माळ्यावेल्या जनेलांतल्यान हांसहांसत सृष्टिसौंदर्य तेळीत सकयल शेंवटता. मदल्या काळांत हवालदार वाऱ्याचे स्पिडीन हातात बूट घेवन तिसऱ्या माळ्याच्या जनेलांत वता आनी जनेलांतल्यान परतोय तो बूट आरोपीच्या पायांत घालता. अशें केल्यारूच हें बुटाचें प्रकरण जाग्यार पडूं येता.

सुप. - सर- हांगा आमचो जीव गळ्याकडेन तेंकला आनी आमकां आदार दिवंचो सांडून तुमी आमच्यो भग्ल्यो मारतात!

पिसो - फ्काणां मारीना. तुमीच आतां सांगात म्हाका, दोन पायांचो मनीस तीन बूट कशें कितें घालतलो?

सावंत - सायब! अशें जालें आसतलें. आरोपीचो एक पांय मात्सो लहान आसलो जावंये. हें व्यंग लिपोवपाखातीर तो एका पायांत दोन बूट घालतालो आसूं येता. हावं म्हणटां अशें आसपाक कांयच आडखळ आसूं नज.

हवालदार - सायबानूं, हें चलत, हें अशें जावं येता.

सुप. - हवालदार, मात्सो ओगी राव. एका पायांत दोन बूट! भांचोदा, गाळव तरी विश्वास दवरीत केन्ना असले गजालीचेर?

हवालदार - पुण सायब, एक पांय ल्हान आसा न्हय ताचो? विस्वास दवरूं येता!

सुप. - पोस्टमोर्टेमांत आरोपीचो एक पांय ल्हान आशिल्लो अशें खंयच म्हणूंक ना. आनी अकस्मात ताचो पांय आटलो म्हणल्यार कोणाक खरें दिसत ? पिश्यांचो बाजार भल्ला हांगा काय कितें रे?

हवालदार - सायब-

सुप. - आतां ओगी बस.

हवालदार - सायब, म्हज्या हातांत पळयात गमबूट आयलो अशें म्हणल्यार? गमबूटापोंदां दुसरो एक बूट खपूं येता.

सुप. - साध्या बुटाचेर वयर कोण केन्ना गमबूट घालता रे दुकरा?

सावंत - भितरले बरे बूट इबाडचे न्हय म्हणून ताणे वयर गमबूट चडयल्ले आसूं येतात!

सुप. - सावंत, आतां तूं सामको आवट्यावरी उलोवपाक लागलो.

सावंत - कित्याक म्हणटा सायब?

सुप. - गमबूट लोक पावसात घालतात पापया, गिमांत न्हय.

सावंत - सायब, सांजवेळा पावस पडटलो अशें ताकां दिसलां आसू येता.

सुप. - सावंता, आरे ही मार्च म्हयन्यांतली गजाल!

हवालदार - सायब - हांव सांगू? तो पणजे कांपालार कला अकादमी संकुल्यात ॲरकन्डिशन्ड दीनानाथ थेटरांत कार्यावळीक वचपाचो आशिल्लो. आनी त्या थेटरांत खंय, खंयच्याय म्हयन्यांत खंयच्याय दिसा जमनींत भोम फुटून उदक वयर सरता-

सुप. - हवालदार, म्हजी तकली आतां फुटपाकडेन पावल्या. च्युत्यांवरी तुजी बडबड चल्ल्या ती मातशी थामयशीय? नाजाल्यार आतां तूंच खंयतरी तोंड घेवन वच आनी जीव दिवन मर! (सामको संतापला)

गमबूट ! खंय आसा तो गमबूट! पयले इन्क्वायरेंत ताचो

उल्लेख ना. पंचनाम्यांत ताचो आसपाव ना. मेल्ल्या मनशाच्या सामायनाचे वळेरेंत गमबुटाचें नांव ना. (आलमारीतल्यान मेल्ल्या मनशाचे सामायन घेवन येता.)

हो, हो बूट - सादो भिकारचोंट बूट - आमचों सगलो स्टेटमेन्ट दिवन जातुकूच सावंत- सावंत तुवेंच तो ह्या सामायनांत गपचुप रिगयला.

सावंत + हवालदार - शू ऽऽऽ

सुप. - शु ऽऽऽ कितें ? ही पळय. ही पळय ह्या बूटाक चीट लायल्या- आयटम नं. ९. हे कोणें बरयलां सावंत ?

सावंत - आतां तुमींच सांगलें म्हुण बरयल्ले न्हय ?

सुप - हांवें, हांवें सांगिल्लें ? सगलेंच हावेंच केलें ? हावें एकल्यान ? कित्याक ? म्हजो वेळ वचनाशिल्लो ? तुजो कांयच हात ना हातूंत ?

हवालदार - सायब-

सुप - तोंड बंद हवालदार- आतां सगलें म्हजेर एकट्याचेर धुंकलात. तुमी दोगूय ते दीस हांगा बसून कितें हजामती करताले काय नाखटां काडटाले ? तुमी दोगूय वेवस्थीत मजा पळयनासले ? भांचोदांनू, तुमी ताका कितें कातकुतल्यो करून हांसयत राविल्ले ?

सावंत - हांव ताका फक्त धकम्यो दित आशिल्लों.

सुप. - सावंत, तूं ताका फक्त धमक्यो दीत आसलो आनी हांव- हांव किते करतालों तर ?

सावंत - तुमीच सगलें केलें सायब.

सुप. - कितें ? हांवें कितें केलें म्हणटा सावंत ?

सावंत - तुमीच ताका जनेलांतल्यान शेंवटिलो.

सुप. - हावं एकलोच, एकलोच जापसालदार ह्या कामाक ? आनी तुमी ? (फोन वाजता) (आतां तिगाय पुलीसांचे लक्ष त्या पिशाकडेन वता. तिगायची भियेवन गुळी जाल्या. हळूहळू तिगूय ताच्या म्हऱ्यांत पावतात. फोन वाजता पुण कोणूच उखलीना.)

पिसो - घेयात, घेयात, फोन उखलात. फोनार्चे कितें म्हणणे आसा तेवूय आयकूंया.

सावंत - सायब तुमी- आमचे झगडें...

पिसो - हांवें कांयच आयकूंक ना. एक उतरलेगीत (सावंत फोन उखलता)

सावंत - (फोनार) हॅलो! कोण? हां, हां, एक मिनिट (सुपरिन्टेन्डेन्टाक) सायब, तुमकां मेळपाक एक पत्रकार आयला.

सुप. - ओ, देवा सायबा! हो त्या त्या सनूसनाटी साप्ताहिकाचो रिपोर्टर आनंद पावसकार. हांव विसल्लों. पळे. ताका मुलाखतीखातीर अपॉयन्टमेन्ट दिल्ली.

सावंत - मुलाखत त्या आकांतवाद्यासंबंदीं मू?

सुप. - हय व्हय, त्याच संदर्भात. नाजाल्यार कोण म्हजी मुलाखत घेतलो? वयल्यान ऑर्डर आसा. ताका मुलाखत दिवन ताचें तोंड बंद करूंक जाय.

सावंत - तो पावसकार म्हणजे भयंकर मनीस. हांव वाचतां ताचें बरप. सदांच खळबळजनक बरयता.

पिसो - सुपरिन्टेन्डेन्ट, तुमी ताका मेळातूच. प्रसंग मोटो कठीण आसा. पत्रकारांक ओगी बसवप सामके गरजेचे.

सुप. - पुण सायब, आमचे इन्क्वायरेचे कितें जातलें?

पिसो - हांव रावता. तुमची मुलाखत पयली जावंदी पावसकाराबरोबर.

सुप. - सायब, तुमी अशें करात. तुमी आफिसांत बसात. हांव रोखडोच येतां.

पिसो - हांव हांगाच बसतां. म्हाका कसलोच त्रास ना.

सावंत - सायब, ताका जर कळत, तुमी दुसरे इन्क्वायरेखातीर आयिल्ले जुईज म्हणून जाल्यार गोंदळ जातलो.

सुप. - सावंत, म्हाका दिसता, जुईजसायब हांगांच बसले जाल्यार अडचण जावंची ना. वयल्यान आमकां तांचो उपेगूच जावं येता.

पिसो - म्हजो उपेग? तो कसो कितें?

सुप. - त्या पत्रकारान वांकडे तिकडे प्रस्न विचाल्ले जाल्यार हाणीं जापो

दिवंच्यो. मातसो हो रूम साफ कर पळोवया.

हवालदार - करतां सायब.

पिसो - हांव हांगां फाटल्यान बसतां. तुमचें काम चालू दवरात. तुमकां अदींमदीं म्हजी किर्तेंय गरज पडल्यार हळुच दोळो मोडात. हांव तयार आसांच.

सुप. - थँक्यू, थँक्यू सायब. तुमी आमकां कितलो धीर आनी आदार दिलो.

हवालदार - सायब, हें जुईजबिईज जांवचेपरस तुमी दुसरेच कोणतरी कित्याक जायनात?

सावंत - दुसरे म्हणजे?

हवालदार - दुसरे म्हणजे अशें की हांणीं दुसरेंच कसलेंतरी संवंग घेवप. म्हणजेच परतेयं नाटक.

सुप. - वा! वा! वंडरफूल आयडिया. पुण जुईजसायब तुमकां जमत मूं हें?

पिसो - वा, वा, तातूंत कठीण किर्तें? अभिनय हो तर म्हजो छंदच. सांगात, आतां हांवें कोण जावपाचें?

सावंत - सायब- हे दुसरे इन्क्वायरे खातीर आठ दिसांभितर हांगां एक फोरेन्सीक एक्स्पार्ट येवपाचो आसा. डॉ. गायतोंडे नावांचो. सायब तुमी डॉ. गायतोंडे जायातूच.

पिसो - तशें जाल्यार म्हाका म्हजो भेस मातसो बदलचो पडटलो. डोन्ट वरी.

सुप. - आतां हांगां आमचेकडेन तुमकां भेस बदलून दिवपाक कांयच ना. सो सॉरी...

पिसो - हुस्को ना. म्हजे पोतयेंत थोडे सामायन आसा. गायतोंडे जावपाक तितलें पुरो जातलें.

सुप - थँक यू, थँक यू! सावंत आपय त्या पत्रकाराक. धाडून दी वयर म्हुण सांग.

सावंत - (फोनार) हॅलो! धाडून दी त्या पत्रकाराक वयर. सुपरिटेंड सायब रावल्यात ताचेखातीर.

पिसो - (आपणाल्यो पोतयो उबारून) हांव रोखडोच डॉ. गायतोंडे

जावन येतां.

सुप. - खूब खूब उपकार जाले सायब आमचेर.

पिसो - आंवय... तातूंत उपकार कसले ?

सुप. - ना कशें ? सरकारी खात्यांत कोण कोणाक इतलो पावता? सगले एकामेकाक फोंडांत घालपाचो चान्स सोदीत आसतात.

पिसो - हांव सदांच कोणाकूय पालव दिवपाक तयार आसतां. फोंड म्हणटात तो जाचो ताणे खणपाचो, जाचो ताणे सांबाळपाचो.

हवालदार - (प्रवेश करून) सायब, पत्रकार पावसकार आयल्यात.

सावंत - येयात, येयात मिस्टर पावसकार. आमी तुमकांच रावताले.

सुप. - मायसेल्फ, सुपरिन्टेन्डेन्ट वालावलीकार.

हवालदार - आनी मायसेल्फ... (सावंत ताकी फाटीं ओडटा)

सुप. - हे इन्स्पे. सावंत. ह्या डिपार्टमेन्टाचे इनचार्ज.

सावंत - प्लीज्ड टु मीट यू.

पावसकार - म्हजो रकाद...

सुप. - मेळिल्लो. बसात बसात.

सावंत - तुमचें बरप आमी आवडीन वाचतांत. खूप बरें बरयतात तुमी, इंटरेस्टींग.

पावसकर - थँक यू, थँक यू.

हवालदार - तुमचो फाटल्या सप्तकांतलो तो लेख 'सोरोप खावपी दादले आनी दादल्यांचेर बलात्कार करपी बायलो.'

सुप. - शूऽऽऽ- : न्हय न्हय बायलांचेर बलात्कार करपी दादले...

पावसकर - आतां वेळ वगडायनासतना आमी कामाक सुरवात केल्यार बरें न्हय? हांगा जें कितें घडलें तें मातूय बरें जालेंना- अशें आमचें स्पष्ट मत.

सुप. - म्हणजे ?

पावस - रेल्वें गाडयेंत बॉम्बस्फोट जालो, सोळा भोंवडेकार मेले. त्यासंबंदीं एका साद्या रेल्वे कर्मचाऱ्याक तुमी आरोपी थारावन धरून हांगां हाडलो-

सावंत - तो सादो नाशिल्लो. बंडखोर, भिरांकुळ आकांतवादी तो.

पावसकर - तो आकांतवादी आशिल्लो म्हणपाक कितें पुरावो आसा ?

सुप. - ताचो रेल्वे कर्मचाऱ्यांच्या युनियनाकडे संबंद आशिल्लो. ही एक लेफ्टीस्ट संघटणा.

पावसकर - इतलोच पुरावो ?

सुप. - ना, ना. आनीकूय आसा. 'ही सध्या आसा ती सगली प्रस्थापीत वेवस्था उमथून, हुमटून उडोवंक जाय- पुलीस म्हणटात ते एक नंबरचे चोर- सगल्या मंत्र्यांक फ़ारान मारूंक जाय' असल्यो गजाली तो जायते फावटी उलयतालो...

पावसकर - अशें तो कोणावांगडा उलयतालो ?

सावंत - भर गर्देचे सुवातेर तो असलें सदां उलयतालो. एक फावट रेल्वे स्टेशनाचेर रावून तो हें उलयिल्ल्याचो पुरावो आसा.

पावसकर - मागीर हें आयकून स्टेशनाचेर किर्ते घडलें ? लोकांनी फार पेटयले काय पिस्तुलांच्यो गुळयो सोडल्यो ?

सावंत - तशें न्हय- म्हणजे- म्हणजे दुसऱ्याच दिसा स्टेशनार इल्ली दंगल जाली. लोकांनी थंयचें घड्याळ, स्टॉल्स, इंडिकेटर्स बी फोडले.

पावस्कार - ताच्या उलोवपाक लागून दंगल जाली ? काय गाड्यो वेळार आयल्योना म्हणून लोकांनी मोडतोड, नासधूस केली ?

सावंत - ताच्याच उलोवपाक लागून. हें पळयात, तसो तो सादो, सामान्य नाशिल्लो.

पावसकार - अशें उलोवपी सगल्याकं आकांतवादी समजतात तुमी ? ह्या देशात खांची कोनशाक सगलेकडेन लोक अशें उलयत आसतात. ह्या सगल्यांक आकांतवादी म्हणटले तुमी ? इतले आकांतवादी ह्या देशातं आशिल्ले जाल्यार देश तिगतलो आशिल्लो हो वेळमेरेन ? आमकां पत्रकारांक खबरांखातीर हांगां थंय हेडचें पडटलें आशिल्लें ? इन्स्पे. सावंत, हांव तुमकां एक प्रस्न विचारूं ?

सावंत - विचारात.

पावसकर - इन्वेस्टिगेशन म्हणल्यार वासपूस करचेवेळार धरून हाडिल्ल्या दुबावीत आरोपींक पुलीस तरातरांनी पिडापीड भोगयतात, तांचो छळ करतात. खोटांचेर धपके मारप, झेलाचेर

न्हिदवप, उलटो हुमकळावप आदीं. दरेक पुलीस अधिकारी पिडापीड भोगोवपाची आपणाली खाशेली पद्धत आपणायता. उपरांत ती पद्धत त्या अधिकाऱ्यांच्या नावांन वळखतात. सावंत, तुमी जनेल- ब्हाद्दर इन्स्पेक्टर म्हुण नामना जोडून रावल्यात.

सावंत - कितें ?

पावसकर - तुमी तपासणेक हाडील्ल्या आरोपीक जनेलांत बसयतात.

सावंत - हँ, हँ, ना हो.

पावसकर - तुमकां जाय तें ताणें मागीर कबुल केलें ना जाल्यार तुमी ताका जनेलांतल्यान हुडकी मारपाक फोर्स करतात.

सावंत - हॅ, हॅ, ओगी कित्याय कितें.

पावसकर - असो तुमचेर स्पष्ट आरोप आसा.

सावंत - हें फट आ, सामकें म्हाका बदनाम करपाखातीर-

पावसकर - हें पत्र...

सावंत - पत्र ? कसलें पत्र ?

पावसकर - आमच्या साप्ताहिकाक- एका राजकी कैद्यान धाडलेलें पत्र. तातूंत ताणें म्हणलां- 'तपासणी चालू आसतना अकस्मात म्हाका जनेलांत बसपाक सांगलें- गुन्यावं कबूल कर नाजाल्यार हुडकी मार. ना जाल्यार हांव दितां तुका धुकलून भायर' अशी धमकी दिली. हांव भियेलों.

सावंत - हें, हें, हें सगलें.

पावसकर - फट न्हय, हो लेखी पुरावो.

सावंत - देवा म्हज्या- आतां कितें करप ?

सुप. - सावंत- भियेवं नाका, भियेवं नाका. जुईज- आमचे गायतोंडे येवपाचे जाले. होल्ड ऑन.

पावसकर - हें कितें चल्लां ?

सुप. - माफ करात हां. मातसो गोदंळ जालो. हांवें हे मुलाखतीखातीर फोरेन्सीक एक्सपर्ट डॉ. गायतोंडे हांकांय आपयले. आमकां उपेग जावं येता. (पिसो येता- वळखूंक येना इतले भेसांतर. एका दोळ्याक पट्टी. हात लाकडी- एक पायूय लाकडी.)

सुप. - हे पत्रकार मि. आनंद पावसकार आनी हे फोरेन्सीक एक्सपर्ट डॉ. गायतोंडे. (पिशाचेर नदर घालतांच खुद्द सुप. अजापता.)

पिसो - हेलो! तुमकां मेळून उमेद जाली. (हात फुडें करता) सॉरी- मातशे शांबावून, शांबाळून- मज्यो हात-

पावसकर - हाताक कितें जालां?

पिसो - ओ आत खोरे नूय.

पावसकर - म्हणजे?

पिसो - ओ आत लाकडाच्यो आशा. लाकडी- लाकडी. बांगला देशाच्या युद्धांत आमच्यो खरो आत गेलो. तेन्ना हो लाकडाचो बशयलो. हो पांयलेगीत खरो नूंय. लाकडाचो कारण चायना १९६५. एक गेर्र म्हणजे आमचो एक पार्ट- आवयाव- वता. आनी पाकिस्तान खंय सध्या गेर्राची तयारी करता. आतां आमच्या आंगाचे खंयचे कितें वचत सांगूं नजो. (इ. सावंत सिगरेट पेटोवपाक वता)

इन्स्पेक्टर प्लीज- नो स्मोकींग. आंगार सगल्याक लाकडी सामायन आसा. कीट पोडली जाल्यार गोबोर अशस्- इंग्लंड वर्सेस ऑस्ट्रेलिया क्रिकेट- आं- तर आमी कितें उलोयटाले?

पावसकर - जनेलांतल्यान धुकलून उडोवपासंबंदीं.

पिसो - वेरी गूड, वेरी गूड.

पावसकर - हांव ह्या प्रकरणासंबंदी म्हायती काडपाक सरकारी हॉस्पीटलांत गेल्लों.

पिसो - आरे वा!

पावसकर - हॉस्पीटलाच्या इमर्जन्सी वार्डाच्या रिपोर्टाप्रमाण आत्महत्या जाली ते रातीकडे- तुमी तांकां एक फोन केल्लो. तुमकां अर्जन्ट ॲम्बूलन्स जाय आशिल्ली.

सावंत - बरोबर आमी रातीकडे ॲम्ब्यूलन्साखातीर फोन केल्लो.

पावसकर - थंय कॉल रिसीव्ह जाल्ल्याचो वेळ नोदयला तो रातचो ११.५५

सावंत - बरोब्बर!

पावसकर - तुमच्या रिपोर्टांत साक्षीदाराचें म्हणणें आसा आरोपीन

सवायबाराक आत्महत्या केली.

सावंत - बरोबर, बरोबर

पावसकर - आत्महत्या जावंचेपयलींच वीस मिनटां आदीं तुमी ॲम्ब्यूलन्स कित्याक मागयल्ली !

सावंत - अ- अ, आं- आं ?

सुप - जायते फावटी अशें जाता- सावधगिरीचो उपाय म्हणून आमी अम्ब्यूलन्स पयलींच मागोवन घेतांत.

सावंत - करेक्ट ! बरोबर- आमी सावधगिरीचो उपाय म्हुण ॲम्ब्यूलन्स पयलींच मागोवन घेतलली.

पावसकर - वासपुशेखातीर धरून हाडिल्लो मनीस १५ मिणटांनी आत्महत्या करपाचो आसा हें तुमकां कळील्लें ?

सुप. - हें पळयात- टायमाचो मात्सो गोंदळ जालो जावं येता. घड्याळ मात्शी फाटींफुडें जावं नज ? आमी १२.२० क फोन केला आसूं येता. आनी हॉस्पीटलाचे घड्याळींत त्योळार ११.५५ जाल्लीं आसूं येतात.

पावसकर - हॉस्पीटलाची घड्याळ २५ मिणटां फाटीं उरली ?

सुप. - कितें आडखळ आसा ?

पावसकर - सरकारी हॉस्पीटल ह्या देशांतूच आसा. फोरेनाक न्हय.

पिसो - म्हणूनूच हों गोंदळ जाव येता. गवर्नमेंट हॉस्पीटलां स्वीत्झरलंडांत ना. हें लक्षात घेयात. हांगा, ह्या देशांत खंयीच दोन मनशांच्या घड्याळींनी एकसारकें वाजना. मनीस एकतर घड्याळ फाटीं वा फुडें दवरतात वा घड्याळीच अशो तयार करतात जातूंत वरां ज्यूस्त केन्ना वाजनात.

पावसकर - हें एक्स्प्लेनेशन पटना.

पिसो - मिस्टर पावस्कार, आज तुमचे मुलाखतीचो वेळ कितें धारायल्लो ?

पावसकार - साडे अकरा

पिसो - तुमी कितल्यांक आयले ?

पावसकर - अकराचाळीसांक. म्हाका- म्हाका धा मिणटां.

पिसो - बरोब्बर - आमी भारतीय मगा तातूंत आनी सुशेगाद गोंयकार.

आमकां वेळेचें बंधन केन्ना लागलां ?

सुप. - वा, वा, गायतोंडे- सुंदर एक्स्प्लेनेशन (फाटीर थापट मारता)

पिसो - सुपरिन्टेन्डेन्ट- दोळो शांबाळात, दोळो.

सुप. - कितें ? दोळो ?

पिसो - म्हजो दावो दोळो- कांवचेचो आसा. व्हडल्यान थापट मारल्यार सकल पडटलो.

सुप. - ओह... सॉरी, सॉरी.

सावंत - मिस्टर पावसकार, तुमी आरतेपरते प्रस्न विचारून कितें कन्क्लूझन काडूंक सोदतात ?

पावसकर - पयले इन्क्वायरेचे सगले रिपोर्टस् हांवें चाळून पळयले. तातूंत आरोपीच्या जनेलांतल्यान भायर शेंवटपाचें खंयच एक्स्पर्ट ॲनॅलिसीस ना. पॅराबोला ना. अशा अपघातांत पॅराबोला खूब म्हत्वाचो आसता.

सुप. - पॅराबोला ?

सावंत - पॅराबोला ?

हवालदार - क्या बोला ? हें आनी कितें लचांड ?

पावसकर - वयरसून सकयल पडपी खंयचेय वस्तीची लायन- ग्राफ आलेख-

हवालदार - पडपी पडलो- मरपी मेलो- आतां लायनी मारून कितें उपेग ?

पावसकर - हाचेवेल्यान आरोपी पडलो तेन्ना तो जितो आशिल्लो काय मेल्लो ताचो अदमास काडूं येता. समजात, ताणे आपुण जावन हुडकी मारली, जाल्यार तो एका झटक्यान पडटलो. बिल्डिंगेक आपटत, घश्टत, झटकटत बॉडी सकयल पडचेली ना. पुण हें प्रकरण पळयतात. तो जायतेकडेन बिल्डिंगेक आपटला, झरकटला, आंगार जायतेकडेन फ्रॅक्चर आसात. ताचो हातूय मोडला. हाचोच अर्थ स्वतःक वाचोवपापासत केल्ले धडपडेंत ताणे आपणालो हातूय फुर्डे केल्लो.

पिसो - सर, आत्महत्त्या करपी मनशाक फक्त मरपाचें आसता. तो मागीर आपणालो हात बोल्शांत दवरचो काय भायर घेवंचो

हाज्येर कित्याक म्हुण चिंटटलो ?

सुप. - गुड, व्हेरी गुड! (परतीय फाटीर थाप मारूक वता)

पिसो - दोळो, शुप्रिटेंड. दोळो वतलो म्हज्यो. तुमी मात आपणालो हात आतां बोल्शांत दवरल्यार बरो. (सुपर. लजेन आपणालो हात बोल्सांत घालता)

पावसकर - त्या आरोपीचे मानेर माराचे वळ- घायाच्यो मावो आशिल्ल्यो हाचो अर्थ ?

सावंत - वळ ? मानो ? कसल्यो ?

पिसो - सावंत, गजाल शादी आशा. माराचे वळ उदेल्ले. ही गजाल ना म्हणपांत अर्थ ना.

पावसकर - वळ कशें उदेले ?

पिसो - मध्यानरातीर हांगां तपाशणी चालू आसलीं तेन्ना आमच्या एका कॉन्स्टेबलान तोलवचून रागाचे भिर्केत ताचे मानेर धपको दिलो.

पावसकर - किर्ते ? म्हणटकच आरोपीक मारझोड जाल्ली तर!

सुप. - ना, ना, आरोपीक मार झोड-

पिसो - सुपरिन्टेन्डेन्ट, आरोपीक अशें मारप चुकीचें आनी बेकायदेशीर पुण दुर्दैवान हांगा अशें घडलें खरे.

सावंत - हें किर्ते चलला हांगां ? अशी मुलाखत दिली जाल्यार डिसमिस जातले आमी आक्ताक शिर्वीशितल्यान.

पिसो - हय व्हय- म्हजी तकली धुंवत सावंत- नवीन काणी जाय काय नाका ?

सावंत - (ल्हव आवाजांत- सॉरी, सॉरी सायब.)

पिसो - तर मिस्टर पावसकार- आमच्या शिपायान ताचे मानेर धपको घालो आनी अकस्मात आरोपी थरथरून झटके दिवंक लागलो. तो पार्शली पॅरलायझ ज्यालो. टाका श्वास घेवपाक टरास जावंक लागलो.

पावसकर - मागीर फुडें-

पिसो - मागीर आमच्या ह्या दोन अधिकाऱ्यांनी टाका ढरून जनेलांत बसयलो.

पावसकर - जनेलांत ?

पिसो - शुद्ध, नितळ, थंड हवा मेळची म्हणून- ताका स्वास घेवपाक शोपें ज्यावंचें म्हणून ज्यानेलांत बसयलो. पुण दुर्दैवाने सदांभाशेन जालें.

पावसकर - कितें जालें सादांभाशेन ?

पिसो - एकल्याक दिसलें दुसऱ्यान धरला आसतलो म्हुण आनी दुसऱ्यान चिंटलें पयल्यान धरून दवरला आशतलो. मजगतीं तो सुटलो- सकयल पडलो आनी खंवझलो.

सुप. - वा! ब्रिलियंट!

सावंत - सुपर्ब, एक्स्लंट!

हवालदार - फंटाश्टीक, अंटार्कटीक! सुपीक!

सुप. - अप्रतीम.

सावंत - क्लासीक.

हवालादरा - दैनिक, साप्ताहीक, मासीक, तासीक.

सुप. - वेल डन, वेल डन गायतोंडें (फाटीर थाप मारता. दोळो पडलो)

पिसो - जालें मूं.

सुप. - कितें ?

पिसो - तुमकां बॉल्शांतल्यान हात काडपाक कोणे सांगिल्ले ? गेलो, दोळो गेलो म्हज्यो. हुंदरानी फारावचे आदीं सोदात- दोळो सोदून दियात. (सगले जमनीर सोदतात)

पावसकर - वा! वा! सुंदर एक्स्प्लेनेशन.

पिसो - थँक्यू, थँक्यू.

पावसकर - तुमचे हे गजालीवेल्यान मात जांयते दुबाव आनी मुद्दे क्लीअर जावंक पावले.

पिसो - ताका झटके येवप - ॲम्ब्यूलन्साक पयलींच आपोवन घेवप- निष्प्राण कूड- बिल्डिंगेक आपटत-धपटत सकयल पड़प.

पावसकर - हो तर अपघातूच म्हणपाचो.

पिसो - हय व्हय अपघातूच तो, ॲक्सिडेंट. ॲन ॲक्सिडेंटल डेथ ऑफ अ सो- कॉल्ड अनार्कीस्ट.

पावसकर - मागीर सुरवेक ताणे आत्महत्या केली अशें पुलिसांनी

कित्याक म्हणलें ?

पिसो - तो पुलिसांचो चुकीचो समज.

पावसकर - गैरसमज ? हां हां गैरसमज.

पिसो - पुलीसांक पयलीं दिसलें, थंड हवेत तो सावशीत जालो आसतलो आनी कितें घडटा तें कळचेआदींच ताणे हुडकी माल्ली आसतली- आत्महत्या केली जातली. पुण तरीय जावन तो अपघातूच आशिल्लो. प्युअर ॲक्सीडन्ट. इन्क्वायरेंत जुईजानूय अशेंच म्हणला. दोळो मेळ्ळो ?

हवालदार - सायब, दोळो कसल्या रंगाचो आशिल्लों ?

पिसो - पांचव्या रंगाचो.

हवालदार - कित्यें ? पांचव्या कोराचो ?

सुप. - हवालदार, आरे गाढवा, दोळो म्हणजे गॉगल न्हय. दोळो ट्रान्स्परंट आसता. (हवालदार दाराकडेन दोळो सोदता. अकस्मात दार नेटान उगडटा)

सावंत - कोण ? कम् इन. (दरवाजो फोर्सान धुकलून उगडिल्ल्यान हवालदार जमनीर. इन्स्पे. देसाय भितर सरता)

देसाय - माफ करात आं, हांवें तुमकां डिस्टर्ब केलें ना मूं ? हांव फक्त हें इतलें दिवपाखातीर आइल्लों.

सुप. - तें कितें ?

देसाय - बँकेत स्फोट जाल्लो- त्या बॉबाची रिप्रॉडक्शन. सामको डिट्टो तसो. इन्क्वायरेखातीर तयार केल्लो बॉब.

सुप. - वा, वा! स्प्लॅन्डीड मि. देसाय. तो बॉब थय दवर मेजार.

सावंत - मेळ्ळो दोळो मेळ्ळो. (देसाय परतो भायर वताना दोळ्यांचेर पाय पडून निसरता. बॉब हवेंत उडटा- सगले किळांचतात. लिपतात. पिसो बॉब धरता. सावंत दोळो उखलता.)

सावंत - मेळ्ळो मेळ्ळो सायब.

हवालदार - पळोवया तरी कसो आसा तो ? देवा, कितलो बारीक दोळो!

सावंत - सायब, घेयात.

देसाय - कितें तें ?

पिसो - म्हजो दावो दोळो. देसाय, धर तुजो बॉंब (बॉंब हवेत उडयता. सगळ्यांची किळांच)

देसाय - भियेवं नाकात- ह्या बॉंबाचो स्फोट जावंचो ना.

हवालदार - खरेलो बॉंबूच मूं तो ? काय सफरचंद ?

देसाय - बॉंब, खरेलोच बॉंब - पुण ताची मेयन वायर डिस्कनेक्ट केल्या.

पावसकार - थँक गॉड- म्हाका दिसलें आतां आमच्यो सगल्यांच्यो तिस्त्यो वादऱ्यो जाता काय म्हुण.

पिसो - सावंत- दोळ्याची सामकी दुर्दशा जाली, गोंयच्या दुर्दर्शनावरी. सामको चेपलो. धुल्लाचो पांय दिवन दोळो कामीण जाल्लेभाशेन दिसता. हवालदार, एक ग्लास उदक-

हवालदार - उदक कित्याक सायब ?

पिसो - दोळ्याक न्हाणोवया.

हवालदार - बाल्देंतल्यान हाडू ?

पिसो - नाका, ग्लासांतल्यानूच हाड.

देसाय - (पिश्याकडे पळोवन) तुमचो तोंडावळो खंयपुण पळयल्लेवरी दिसता.

पिसो - आसत पळयलाय आसूं येता.

देसाय - म्हाका दिसता, सेर्त- हांवें तुमकां

पिसो - आमच्या दोगांयच्या दोळ्यांचेर पट्ट्यो आसात.

सुप. - चलात- हावं तुमची वळख करू दितां. हों इन्स्पेक्टर देसाय, क्रायम ब्रांच आनी हे डॉ. गायतोंडे.

देसाय - हॅलो.

सुप. - डॉ. गायतोंडे, फोरेन्सीक एक्स्पर्ट, न्यू देल्ली.

देसाय - कितें ? इम्पॉस्सिबल, जस्ट कान्ट बी.

सुप. - कितें ?

देसाय - हे दिल्लीचे फोरेन्सीक एक्स्पर्ट आसूंच नज. हांव वळखतां गायतोंडेक. (सावंत देसायाचेर खोंट घालता.)

सावंत - देसाय- देसाय, तूं कसो वळखता दिल्लीच्या गायतोंडेक.

देसाय - सावंत- तु- तु- तुवें परतीय खोंट घाली म्हजेर! एदोळ

कानसुलार फुलयर्ले, आतां खोंट-

सुप. - पुरो रे.

देसाय - सावंत्या- म्हजेर खोंटो घालता, कानसुलार फुलयता.

सुप. - पुरो, पुरो, खूब जालो शोव.

देसाय - सांवत्या, भांचोदा, येदोळ म्हज्या आफिसांत येवन म्हजेर थापट फुलयर्ले, आतां कित्याक मारता म्हाका ?

सावंत - देसाय, तुवें म्हजो इन्सल्ट केला.

देसाय - केन्ना रे इन्सल्ट केलो तुजो ?

सावंत - फोनाचेर म्हजो बापूय वयर काडटा हलकटा ?

देसाय - आंयें ? कोणे वयर काडलो बापूय तुजो आनी केन्ना ?

सावंत - म्हज्या तोंडार थुकता ?

देसाय - कोण थुकलो ? केन्ना ?

सुप. - पुरो रे आतां. हांगां परकी मनीस बसल्यात तेंय दिसना? हे पत्रकार.

देसाय - बरें आसा बरें आसा- पुण हो मात गायतोंडे (सुप. देसायाचेर खोंट घालता)

सुप. - हो गायतोंडेच.

सावंत - आतां तरी कळ्ळें ?

देसाय - ना, म्हाका कांयच कळूंक ना. पुण हो मनीस गायतो- (सुप. परतेय खोंट घालता. हवालदार उदक हाडटा)

हवालदार - उदक, उदक सायब.

पिसो - थँक्यू, (दोळो उदकांत घालता. ग्लास मेजार दवरता.)

सावंत - (देसायाच्या कानांत) मागीर सगलें सांगतां- धीर धर.

सुप. - मिस्टर पावसकार- एक पत्रकार एक म्हत्वाची मुलाखत घेवपाक ते हांगांसर आयल्यात. आनी हे इन्स्पे. देसाय. आमचे एक्स्प्लोझीव्स् एक्स्पर्ट.

पावस्कार - ओ, रियली ! इ. देसाय, हावं तुमकां काय प्रस्न विचारूंक सोदतां.

देसाय - ओ शूवर.

पावस्कार - तुमी म्हणटात- फाटी बँकेंत स्फोट जाल्लो त्या बॉबाची ही

प्रतिकृती म्हुण.

देसाय - बरोबर. स्फोटाउपरांत थंय जे कुडके मेळ्ळे आनी जे पद्धतीन स्फोट जाल्लो- ताचेवेल्यान हो बॉंब आमी लॅबोरेटरींत तयार केलो. सामको डिट्टो मूळ बॉंबावरीच.

पावसकर - ओरिजिनल बॉंब मेळ्ळो जाल्यार, बॉंब तयार करपी मनीस सोदून काडू येता ?

देसाय - थोड्यामोव प्रमाणांव हें शक्य आसा.

पावस्कार - हालीं तेंपार देशांत जायते कडेन स्फोट जावंचे पयलींच जितेजिवे बॉंब मेळ्ळ्यात.

देसाय - हय व्हय.

पावसकर - इतले म्हत्वाचे पुरावे आसतना गुन्यांवकाराक सोदूक काडचेपयलींच तुमी ते बॉंब ताकतिकेन नष्ट करून कित्याक उडयले ?

देसाय - अ-अ...

पावसकार - हाचो अर्थ

देसाय - अर्थ ? हाचो ?

पावस्कार - असले बॉंबस्फोट राज्यांत जावंचे, अराजक येवंचे, दंगली घडच्यो, आनी नाकाशिल्ल्या राज्यसरकारांचेर बगलांटा घालून तीं उमथूंक सोपें जांवचे. ह्याच खातीर हो सगलो प्लॉट बी न्हय मू ?

देसाय - तुमकां कितें म्हणपाचें आसा ? कितेंयपुण निव्वळ सॅन्सेशनल बरोवंक मेळचें म्हणून तुमी पत्रकार हे आरोप रचतात. पुण हे सामकें फट इतलें मतींत दवरात.

पावसकार - प्रत्यक्ष स्फोटाफाटल्यान तुमचो हात नासत घडये पुण ते स्फोट घडोवन हाडटल्यांक तुमचो पालव तरी मेळटा काय ना ?

देसाय - कित्यावेल्यान ?

पावसकर - तुमी तांकां संरक्षण दिनात ?

देसाय - फट, सामके फट.

पावस्कार - मागीर मेळिल्ले बॉंब, ताकतिकेन ना करून कित्याक

उडयतात ?

पिसो - देसाय, मात्सो राव, फोरेन्सीक एक्स्पर्ट ह्या नात्यान हांव इल्लें उलोवं ?

देसाय - तूं, तू कोण ? सायब- हो- हो तो फोरेन्सीक (सावंत + सुपरिन्टेन्डेन्ट देसायाच्या पायांचेर उबे. तो कळवळटा)

सुपर - आमकां खबर आसा.

देसाय - मागीर हो कोण ? कोण हो ?

पिसो - हें पळयात, हो एक बॉंब. सामको कॉम्प्लीकेडेट. हांतूंत हजारांनी वायरी आसतात. सामको वायरींचो गुठलो. हो प्रायमींग डिवायस- ही एकादेवळ डबल प्रायमिंग डिवायसूय आसू येता. हो ॲसीड बूबी ट्रॅप - आतां अशें जावं येता-

सुप. - सामको एक्स्पर्टावरी उलयता न्हय ?

पिसो - आतं प्रयोगशाळेंत हो बॉंब डिस्मेंटल करपाक पुराय एक दीस लागू येता. हें काम करतासताना एकादो धडाम् ऽऽऽ (बॉंब हवेंत उडयता- सगले भियेवन किळांचतात) सगल्यांचे कुडके, ठिकऱ्यो, तिस्त्यो वादऱ्यो जातल्यो. सगल्यांचो एकाच वेळार खिमो वा पिठो जावंचे परस बॉंब नष्ट करप समा काय न्हय ?

पावस्कर - बरोबर तुमचें. नाउ आएम कन्वीन्स्ड.

सुप. - बिनतोड मुद्दो. म्हाकाय पटलें. वेल डन गायतोंडे, रियली ब्रिलयंट (हात दिता- पिश्याचो हात निखळटा आनी सुप. च्या हातांत येता.)

पिसो - हात गेलो. हांवें पयलींच सांगिल्लें हात लाकडाचो आसा तेन्ना सांबाळात म्हणून.

सुपर - सॉरी सायब.

पिसो - हरकत ना, नो प्रॉब्लेम. हात परतोय जाग्यार बसोव येता. (पिसो हात परतोय बसयता)

सावंत - देसाय - सांग- तूंय ह्या बॉंबासंबंदी कितेंय पुण उलय.

देसाय - बॉंब म्हणटात तो भयंकर कॉम्प्लिकेडेट आसता.

पावस्कर - ह्या बॉंबापरसूय ?

देसाय - हय व्हय. एकादो स्कील्ड एक्स्पर्टच हे तयार करूंक जाणा

जातलो. पुराय तंत्रीक गिन्यान गरजेचें.

पावसकार - असले बॉंब तयार करप ताचो स्फोट घडोवन हाडप, एकादे ल्हानशे संघटणेक, एखाद्या युनियनाक शक्य आसता व्हय? तुमी ह्या साबार प्रकरणांत सामान्य मनशांक घुस्पायले?

पिसो - तुमी अशें बी सुचोवंक सोदतात मि. पावसकार की आमी व्हडल्या, गुप्त आनी छुप्या संघटणाकडेन चड लक्ष दिवंक जाय?

पावस्कार - करेक्ट!

पिसो - सर, तुमकां अशें दिसता की सत्ताधाऱ्यांच्या, राज्यकर्त्यांच्या आशीर्वादान मदेल्ले गुंड, डाकू, चोर, समाजद्रोही, स्मगलर्स हांकां आमी भितर उडोंवचें, तांकां पालव दिवपी भ्रष्टाचारी मंत्री तांचे मदांध सोयरे उद्योगपती हांकां आमी जाहीरपणान उगडेनागडे करचे, सरकारी अधिकाऱ्यांक रस्त्यार ओडचे, तांकां चाबकांनी फोडचें.

देसाय - मॅड, मॅड, अवचिंद- हांव सांगतां हो, तो-

सुप. - ...देसाय, मात्सो ओगी राव.

देसाय - पुण सायब-

सुप. - ही तागेली पद्धत. पयलीं उरफार्टें उलोवन मागीर पॉयन्ट जिरवपाची.

पिसो - मान्य, म्हाका सगलें मान्य. आमी पुलीस मुदलांतल्या गुन्यावकाराक सोडून सामान्यांक पिडटांत, तांकां जियेवप कठीण करून सोडटांत.

पावस्कार - पुलिशेंत आसुनूय तुमी ही भास उलयतात- अजापूच म्हणपाचें, खूब लोक आसतात अशें- स्वतःच्यो चुकी मान्य करपी. वा! वा! ग्रेट! खऱ्यांनीच मि. गायतोंडे, आय. एम. व्हेरी हॅपी. (हात मेळयता- परतोय ताचे हात पावसकाराच्या हातांत येता.)

पावस्कार - सॉरी, परतोय तुमचो हात.

पिसो - आसूं, आसूं तुमच्याच हातांत तो. म्हजेकडेन दुसरो आसा

(दुसरो हात पोतयेंतल्यान काडटा) स्पेअर हात पोतयेंत दवरतां हांव वेळाप्रसंगार उपकारा पडटा.

पावस्कार - हो, हात! हो लेडीज् सो दिसता, पुण.

पिसो - ना, ना. हो परकी हात. प्लीज, हात सांबाळून. विखारी हात तो.

पावस्कार - कितें ? विखारी ?

पिसो - हय. भिकूण बी जावंचे न्हय म्हुण टीक - २० शिंपडायला ताचेर. (वीट येवन पावस्कार तो हात सकयल उडयता. हवालदार दाराकडेन उबो आसता. हात ताचे तकलेर आपटता.)

हवालदार - आवयूस ! हो हात काय हातोडो रे ?

देसाय - हो गायतोंडेच काय...

सुप. - देसाय, शट् अप!

देसाय - हो कोट, हो कोट म्हजो-वळखलों, सुप्रिटेन्ड सायब, हाका हांव वळखलों, होच तो भांचोद पिसो-

सुप. - देसाय-

देसाय - सायब- हांव हाका वळखतां हाणे मेकप केला, भेस बदल्ला.

सावंत - आमकां खबर आसा.

देसाय - सायब, सायब हो पिसो- पिसो.

सुप. - देसाय, पिशें तुका लागलां, तुकाच.

देसाय - सायबान्, म्हजें आयकून तरी घेयात. (सुप+सावंत देसायाचेर झडप घालतात. भयर वतात)

पिसो - सर, तुमी एक पत्रकार. तुमकां समाजांतलो भ्रष्टाचार वाऱ्यार घालपाचो आसा. तुमकां सामान्य जनतेचेर पुलीसांकडल्यान जावपी अत्याचाराआड आवाज काडपाचो असा, गरीब दुबळ्या लोकांच्या दुःखाक वाचा फोडपाची आसा.

पावस्कार - हेंच, हेंच तर आमचें काम, कर्तव्य.

पिसो - पुण मि. पावसकार, उपेग कितें हाचो ? एक खळबळजनक लेख, एकादी सनसनाटी खबर दिवप. काय पुलीसांच्यो नोकऱ्यो वतल्यो, कांय जाणांच्यो बदल्यो जातल्यो, इतलेंच.

पावस्कार - तातूंत कितें वायट तर? पुलीसांक आनी संबंदितांक ख्यास्त ही जावंकूच जाय.

पिसो - कसली ख्यास्त? हे वतले, दुसरे येतले. सामान्य मनीस चिड्डत उरतलो. सनसनाटी लेख बरोवन तुमी कितें सादतले? कितें मेळयतलें? सरसकट वाचप्यांचें मनोरंजन. तुमच्या त्या पानभर बरपावळींतल्यान प्रस्थापीत वेवस्थेंत, सत्तेंत कितें पुण बदल जातलो व्हय? जो सरकार भ्रष्टाचारी मार्गान वेंचून येता, भ्रष्टाचाराक खतपाणी घालता जो सरकार जमनींत घट्ट पांय रोमून उबो आसा ताका तुमच्या बरपान हालोवंपाक जाता? (देसाय आनी हेर येतात)

देसाय - म्हजेकडेन पुरावो आसा. हांव सिद्ध करतां आतांच. (पिशाच्या दोळ्यावेली पट्टी काडटा) पळयात, पळयात हाचें ढोंग. हाच्या दोळ्यांक कांयच जावक ना.

सुप. - आमकां खबर आसा.

देसाय - हाचे दोनूय दोळे वेवस्थीत आसात.

सावंत - देसाय, प्रत्येक मनशाक दोनूच दोळे आसतात.

देसाय - मागीर हो मादरचोद दोळ्यांर पट्टी बांदून कित्याक भोंवता? कसलीं नाटकां करता? कोणाक फटोवपाखातीर?

पिसो - मजा- मजा म्हणून

देसाय - मजा म्हणून? शाबास?

सुप. - हय व्हय, मजा. (दोगूय हांसतात)

देसाय - हो गायतोंडे- (सुप. + सावंत ताचेर घुरी घालतात, ताका धुकलीत भायर व्हरतात)

पिसो - तर आमी कितें उलयताले? हय व्हय सनसनाटी. ह्या देशांतल्या लोकांक कोणेय पुण सत्य समजावन बरें सांगपाची गरज आसा सत्य. पुण तुमी पत्रकार लोकांक कितें दितात? फकत सनसनाटी खबरी. तांकांय अन्न, वस्त्र आलाशिरो, जाय. सरकार कितें दिता तांकां? रंगीबेरंगी सपना, घोशणा, आश्वासनां!

पावसकार - हांवूंय हेंच म्हणटां. हें सगलें पत्रकारांनी वाऱ्यार घालूंक

जाय.

पिसो - किर्ते उपेग ? किर्ते उपेग जालो आजवेर? भागलपुराक पुलीसांनी. कैद्यांचे दोळे काडले. दिल्लींत कुष्ट्यांचेर लाठी हल्लो. बिहारंत कैद्यांक कायमचे इंपोटेंट करून उडयले. गरीब, चिह्णल्या- माह्णल्या दलिताचेर अत्याचार. निष्पाप लोकांचेर लाठीचार्ज, गोळीबार, बायलांचेर बलात्कार. अन्याय जालो तरी सामान्य मनीस पुलिसांमेरेन वचपाक भियेंता कारण तो जाणा अन्याय करपीच खुद्द पुलीसांचो मनीस म्हुण. पुलीसांच्या आशर्वादान गुंड हुस्क्यामेकळे भोंवतात, पुलीसांच्या अत्याचाराक सध्या हुंवार आयला- सगलें भ्रष्ट जालां. संपूर्ण वेवस्था सडल्यां, कुसल्या आनी तुमी- तुमी पत्रकार फक्त सनसनाटी खबरो शापपांत गुल्ल आसात.

पावसकर - मागीर आमी आनीक किर्ते करपाचें?

पिसो - संपूर्ण वेवस्था कुसता तेन्ना वयलेवयर बुड्डूपांत अर्थ नासता. रोगाचें मुळ सोदून काडचें पडटा जाल्यारूच कुशिल्ली वेवस्था कोसळून पडूं येता. फक्त मुळाचेरूच घाव घाल्यार. (पिसो स्वतःचो पांय सोडयता. सुप. + सावंत, देसायाची फाट धरपाक धांवत येतात. हवालदार तांका दुसरोच दरवाजो दाखयता.

पावसकार - तुमी एक्झाक्टली कोण तर (देसाय येता)

देसाय - एक्झाक्टली हांव सांगतां (सुप. + सावं. येतात) हो पळयात ताचो दोको खोटो.

सावंत - हयच - तो खोटोच आसा.

सुप. - तो लाकडाचो दोकों. लांकडी दोको लाकडाचो आता, खरो नासता.

देसाय - तो खरेल्लो फटीचो दोंको. ताणे आपणाल्या खरेल्या दोक्याक बांदला.

पावस - हें, हें सगलें किर्ते चलला? अरे, ये सब क्या हो रहा है? काय झालं?

सुप. - बाळ रडत होतं. मि. पावसकार, माफ करात आं. इन्स्पेक्टर देसायाक पिसायेचो झटको आयला. अदींमंदीं केन्ना केन्ना जाता ताका अशें.

देसाय - म्हाका कसलोच झटको बिटको येवंक ना. हो, हो तर सामको पिसो. (सुप + सावंत आरडत देसायाचे हल्लो करतात. देसाय फासाळटा. पिस्तुल काडटा आनी तांचेर जोखता)

देसाय - हॅन्ड्स अप.

सुप + सावंत - कितें ?

देसाय - हॅन्ड्स अप! वणटीक तेंकून उबे रावांत. नाजाल्यार घालतां गुळीं.

सावंत - देसाय, आरे कसलीं फ्काणां करता ?

देसाय - हांव तुमकां अखेरचें सांगतां. हॅन्ड्स् अप. हालचाल करशात जाल्यार हांव जापसालदार ना.

पावसकार - ओ, माय गॉड. आरे हें चललां कितें ?

सुप. - देसाय, एक्सायट जावं नाका. प्लीझ, काम डावन. थंड जा, शांत जा मातसो. परकी लोक पळयतात मरे.

देसाय - लोक गेले मष्णांत. हावं आतां कोणालेंच कांयच आयकुपाचों ना. (सगळ्यांचे हात वयर- देसाय बेडयो भायर काडटा) मि. पावसकार, प्लीज फुर्डें येयात. माका मातसो पालव दियात. ह्या तिगांकूय जनेलाक बांदूया. (पावसकार ताका आदार दिता. तिगांकूय जनेलाक बांदता. देसाय पुर्डें येवन सुप. क.) सायब, माफ करात. हांवें तुमकां बेडयो घाल्यो म्हणून. पुण दुसरो उपायूच नाशिल्लो. इतले फावटी विनवणी करूनूय तुमी म्हजें कांयच आयकुपाक तयार नात मागीर हांवें तरी कितें करपाचें ? म्हाका तुमी उलोवंकूच दिनात. (पिशाच्या म्हऱ्यांत येवन) फोद्रेच्या उलय, उलय आतां. भांचोदा, तूं कोण ? सांग. ह्या सगल्यांक आतां तूं कोण ते सांग.

सावं. + सुप. - नाका नाका- सगलो गोंदळ जातलो.

देसाय - दाखय- काड फोद्रेच्या तुगेलीं कागदपत्रां आनी सांग हांकां तूं नक्की कोण तें. दोतोराचो रिपोर्ट दाखय. (पिसो रिपोर्ट

दाखयता. सुप. + सावं. + हवा. वाचतात)

'मि. पावसकार. भारताक स्वातंत्र्य मेळून सुमार ४७ वरसां उलगलीं इतलीं वरसां लोक वाट पळयत आसात. देस आमचो जालो, आमच्या देसातं आतां आमचें बरें जातलें, कल्याण जतालें, रामराज्य येतलें अशें दिशिल्लें. पुण जालें कितें ह्या ४७ वरसांत? सामान्य मनीस आशिल्लो थंयच आसा. स्वतंत्रतायेची पदां म्हणत, सुवाळे पळयत फटींग भाशणां आयकत- तो रंगीत सपना पळयत आसा. कलर टी. वी. वेलीं रंगीत सपना पळोवन पळोवन तो आतां जाम जाला, थकला दुबळो जाला. फाल्यांतरी आपणालें जिवीत सुखाचें जातलें, सुदरतलें हे एकेच आशेचेर तो दीस काडटा.

पावसकर - सामकें खरें.

पिसो - आनी तुमी पत्रकार- रंगीत मासिकां काडटात, साप्ताहिकां, दैनिका तांच्या तोंडार मारतात. सनसनाटी खबरो शापतात. तुमी तांकां कितेंय पुण घडटलें म्हणपाची फकत आस दाखयतात, हांयस दाखयतात.

पावसकार - आमी पत्रकार फक्त स्कॅन्डल्स तयार करतात हें म्हणप चुकीचें. राज्यकर्त्यांचेर आनी सत्ताधाऱ्यांचेर आमच्या खबराचो परिणाम जावंक नासलो जाल्यार आइल्ल्या दिसा प्रेसाचेर सेंसोरशीप आनी हेर निर्बंध कित्याक येवपाचे?

सुप. - म्हणजे हो खरो पिसो तर? खरेलो पिसो?

सावंत - सायब, भारतांतली सगली पिश्यां हॉस्पीटलां भोंवला हो. हें पळयात. पुर्णे, ठाणे, येरवडा, मानिकोंब, आल्तीन, रांची.

देसाय - सायब, हेंच तर सांगतालो हांव इतलो वेळ- हो थार पिसो.

पिसो - मिस्टर मान्य. तुमच्यो खबरो सत्तेक तात्पुरतो धपको दितात आसतूय. पुण जाता कितें? तुमी तें शिमिट प्रकरण भायर काडलें. समाजांत खळबळ जाता- पैशे घेवन जमनीचीं वाटपां जालीं. खूब चर्चा जाली. लोकांक हें पयलींच खबर आसता. पुण शापून आयलें म्हणटुकुच कितेंय पुण घडटलें अशें दिसता. घडटा कितें तरी? ना. एकलो वता दुसरो येता.

दुसरो परतोय लोकांमदीं नव्यो आशा निर्माण करता. गरीबाक जमीन, सगल्यांक घरां, घरटीं रोजगार, खुल्या बाजारांत शिमीट, साकर आनी हेर जायतें खंय आसात घरां? खंय आसा शिमिट? खंय आसा जमीन? स्कॅन्डलां फक्त नव्यो आशा जल्माक घालतात. मनशांक दुबळे करून उडयतात. चडशे लोक अशिक्षित, अन्नाडी. तांका जियेवप आनी केळ जीतें रावप हांतलो फरक तरी कळटा? उरील्ले लोक दुबळे- वर्तमानपत्रांनी निर्माण केल्ले आशेचेर दीस काडपी.

सुप. - हो पिसो, पिसो. मालक्रियाद हांगां भाशणां दिवपाक आयला?

सावंत - म्हणजे हांगां एक पिसो रिगलो आनी आपुण जुईज अशें सांगून दुसरी इन्क्वायरी सुरू केली काय कितें?

देसाय - हांव इतलो वेळ तुमकां आइडून आइडून सांगतां तें कितें तर?

सुप. - ह्या, ह्या अवचिंदान- म्हाका, एका पुलीस सुपरीन्टेन्डेन्टाक पदां म्हणूक लागलीं, नाचपाक लायलें भर आफिसांत. ताणे कितें कितें आमचे कडल्यान करून घेतलें- आवयस, देवा, यादूच काडल्यार...

पिसो - हांव, आतां ह्यापुडें जें कितें करतलों तें तर चडूच मिरांकूळ आसा. (टिप रॅकॉर्डर भायर काडटा. ऑन करता. पान नं. वयले संवाद आयकूंक येतात. सगल्यांचे दोळे धवे जातात.) तुमचीं सगलीं उतरां रेकॉर्ड जाल्यांत. हांव हांगा आइल्लों तेन्नाच्यान आतां मेरेनचीं.

पावसकर - म्हणजे, तुमी- तुमी आसात तरी कोण? कितें? तुमी?

देसाय - मिस्टर ! तुमी वळखतात हाका?

पावसकर - हय. हो प्रभू काणकोणकार.

सगलें - कितें?

पावसकर - लेफ्टीस्ट संघटणेचो मुखेल कार्यकर्तो, ॲक्टीव वावुरपी.

सुप. - आरे, होच पुलीसांक जाय आशिल्लो. फाटलीं जायतीं वरसां हो अंडरग्राउन्ड रावून काम करता.

सावंत - म्हणजे- हो पिश्यांचीं संवगां करून, भेस बदलून पुलीसांक फटयतालो.

सुप. - देसाय? कितें पळयता? घाल घाल गुळी. भांचोद आतां सुटूंक उपकरना. जंयचे थंय काबार जावंक जाय. इमीजिएटली इन अ पुलीस इन्काउन्टर (पिसो हुडक मारून बॉंब उखलता)

पिसो - हांव एकटो मरचोंना. ही चावी घुंवडायली तर तुमी सगले खलास. जंयचे थंय काबार. इमीजिएटली इन अ पुलीस एन्काउन्टर. पुलीस और सीमा सुरक्षा सैनिकोंके साथ मुठभेडमें.

पावस्कर - ओ गॉड. हें कितें चल्लां सगलें?

देसाय - भियेवं नाकात. ए, कोणाक पिशें लायता? कोणाक भेश्टायता तूं? त्या बॉंबाचो स्फोट जावपाचो ना.

पिसो - बास्स. मात्शी कोर्द घुवळायता, सगळो खेळ खलास.

देसाय - ताची मेयन वायर डिस्कनेक्ट केल्ली आसा.

पिसो - देसाय, लावं बोट - घुंवडावं कोर्द? मजा पळयतलो? (देसाय लागीं वता. पिसो ताका बॉंब दाखयता. बॉंबाक पिश्यान एक नवीनूच हॅन्डल लायल्या)

देसाय - ओ गॉड! हें हॅन्डल खंयसून आयलें?

पिसो - देसाय- हांव सदांच म्हजेबरोबर साद्यो साद्यो गजाली बाळगितां. देसाय, पिस्तुल मेजार दवर आनी फाटी सर- फाटीं- आपणाल्या मनशांमदीं घे बांदून स्वतःक (देसाय तशें करता) शाब्बास! गुड बॉय.

सुप. - तूं आतां हे टेपीचें कितें करतलो?

पिसो - पांचसयशीं कॉपीज् काडटलों. सगल्यांक वांटटलों. समाजांत खळबळ जातली. घराघरांत लोक पुलीसांकडल्यान जावपी अत्याचाराच्यो खबरो पुलीसांच्याच तोंडांतल्यान आयकतले. वर्तमानपत्रांतल्या खबरांपरस हें चड सनसनाटीपूर्ण आसतलें. कितें? पुण दुर्दैवान तुमकां मात ही मजा पळोवंक मेळची ना.

सुप. - म्हणजे?

पिसो - हांवें तुमकां सोडले जाल्यार आत्तां म्हजें मडें हांगां पातळललें दिसतलें- आनी सकाळच्या पेपरांत फाल्यां खबर- पोलीसांवांगडा जाल्ले चकमकेंत कुप्रसिद्ध भूमिगत गुंड प्रभू

काणकोणकार ठार. मि. पावसकार, चावयो हांगां हाड. (तो चावयो दिता) म्हाका टेपीच्यो कॉपीज काडपाक उणोच तो देड दीस तरी लागतलो. (बॉम्ब उखलता)

सुप. - किर्ते- आरे किर्ते करता तूं हें ?

पिसो - हो बॉब येता त्या पाच मिण्टांनी फुट्टटलो.

हवालदार - वाचयात, आमकां वाटायात.

सुप. - तुजी तकली घुंवल्या- पिसो जालां तू सामको.

पावसकार - प्रभू- ना. तुका अशें करूंक मेळचेंना.

पिसो - कित्याक म्हणटा तूं ?

पावसकार - इतल्या मनशांक थंडपणान तुज्यान मारूं नय.

पिसो - कित्याक? ताणी माल्ले नात जायत्या लोकांक? तांकांच विचार. हातांत तोणके आसात म्हुण कितल्या निरपराध लोकांक आजवेर बडयले ताणी? पिस्तुलां आसात म्हुण कितल्या निष्पाप लोकांचे बळी घेतले ?

पावसकार - तुज्यान कायदो हातांत घेवंनज. न्यायनिवाडो म्हणटात तो कोर्टांतूच जावंक जाय.

पिसो - म्हाका त्या कामाक वेळ ना. म्हाका फावना कोर्टांत फावटी मारपाक. आनी कोर्टांत किर्ते जावपाक पडलां? केस चालू आसतना- म्हाका ट्रकापोंदां नाजाल्यार गाडयेपोंदां पडून अपघात-

पावसकार - ना, ना. इतल्या मनशांक मारपाक तुका हांव दिवंचोंना. रगत व्हांवोवन केल्ली क्रांती आनी समाजीक बदल कोणूच मानून घेवंचो ना. महात्मा गांधींचो देश हो.

पिसो - म्हाका तरी खंय आवडटा रक्तपात, हिंसाचार-

पावसकर - मागीर हें सगलें तूं-

पिसो - आमकां कितेय बदलपाचें आसल्यार, अन्याय- अत्याचार थांबोवपाचो जाल्यार- सध्याची वेवस्था मुळासकट हुमटून उडोवंची जाल्यार- पेनां झरोवन आनी भाशणां तापोवन ओगी रावूंक मेळचेंना. नवो समाज घडोवपाखातीर दरेक वाठारांत झुजचें पडटलें. शांतताय काय हिंसा, हाचेर येवजीत बसल्यार

कसलोच निर्णय जावंचे पयलींच हे वेवस्थेन तुमकां काबार केल्लें आसतलें.

सुप. - आरे, हें कितें आडायलां? कितें चल्लां हें? भाशण थांबय.

सावंत - तुमकां दोगांकूय पिशें लागला. बॉम्ब फुटपाक आतां फक्त दोन मिणटा उरल्यांत. आनी तुमी गांधीवाद काय रक्तपात हाचेर वाद घालीत रावल्यात!

हवालदार - दोन मिणटां- फक्त दोन मिणटां. मागीर खलास. देवा मेलों, देवा रे.

सावं. + सुप. - प्लीझ, आमकां वांचयात. पायां पडटां.

हवा - दया करात- वाटायात.

सुप. - मि. पावसकार, प्लीज.

पिसो - तांका तुमच्या आदाराची गरज आसा. हांव वचूं?

पावस्कर - तूं असो सुटचो ना. तुका फासाळूंक मेळचें ना. पळून वचूंक मेळचेंना. खांची धाळींतल्यान लोक तुका सोदून काडटलेच.

देसाय - फक्त एक मिनिट. प्लीझ बेगीन.

पिसो - बरें आसा. हांव चललों. ह्यो घे बेड्यांच्यो चावयो. निर्णय कितें तो तुवेंच घेवपाचो. तांकां सोडय आनी लोकांची सहानुभूती, शाबसकी मेळय. सॅन्सेशनल खबरो छाप. पैसो आनी नांव जोड. तांकां सोडले नाजाल्यार लोक म्हणटले- तुका पिशें लागलां, म्हजेसारकेंच. मूर्खांच्या ह्या देसांत, पिश्यांची गरज आसता हें मात विसरू नाका. निर्णय फक्त तुवें घेवपाचो. (चावयो दिता आनी वता)

देसाय - प्लीज पावसकार, बेगीन, बेगीन चावयो-

सुप. - प्लीज, पावस्कार, काकुळट कर आमची.

सावंत - फुडाराक म्हाका गोळार दिल्यार जाता- पुण आतां मात-

हवालदार - वाचयात हो, वाटायात, पायां पडटां.

सगले - वाटायात हो आमकां वांचयात.

पिसो - (स्टेजीफुडल्यान- एका स्पॉटातं उबो रावला.)

लोकांनू, पावसकाराक थारावं दी, निर्णय घेवं दी- तुमी अशें अस्वस्थ जावं नाकात- मातलेगीत- कांय प्रस्नांच्यो जापो

रोखड्यारोखड्यो मेळनात. चडकरून, जेन्ना सगलें, खलास जावपाक फकत तीस सेकंद उरील्ले आसतात. निर्णय किर्ते तो पावसकारान घेवपाचो. आतां पळोवया- तो किर्ते करता तें.

(पावसकार दाराकडेन वता. ताच्या हातांत चावयो आसात. तो अस्वस्थ. ताचो निर्णय जायना. सगले पुलीस काकुळटेक आयल्यात. गयावया करतात, पावसकार दारांतल्यान भायर वता. सगले 'मेलो', 'मेलों, आवयगे, देवारे वाचयात, सोडयात' अशें उलयतात आरडी व्हुयेली मारतात. बॉम्ब फुट्टा. प्रचंड आवाज- काळोख) परतोय कोनश्याक उबो आशिल्ल्या पिश्याचेर स्पॉट.)

खरें म्हणल्यार नाटक हांगांच सोपोवं येतालें. हांगांच अंकाचो पड्डो उडोवन आनी तुमी सदांवरी हांसत खेळत घरा परतुपाक कसलीचा आडखळ नाशिल्ली. म्हाकाय ह्या नाटकाचो असोच शेवट सुखान्त दिसपाचो. पुण हांव जाणां- तुमकां नाटकाचो असो शेवट मानवपाचो ना. पटपाचो ना. म्हजेसारकिल्या, गुंड, माथेफिरू, अतिरेकी मनशांविशी तुमकां मातूय दयामाया दिसची ना. चौगांक मारून, एक अतिरेकी, गुंड जिखलो, एक अतिरेकी, गुंड जिखलो, हे गजालीचो तुमकां त्रास जतालो. तुमका रातीकडेन न्हीद लागची ना. हॉलाभायर सरतनाच तुमी म्हणटले. कायच ना जाल्यार निदान त्या पावसकारान तरी सज्जनपणान चलपाचें- गुंडाच्या बचक्यांतल्यान त्या चौगांक सोडोवंक जाय आशिल्लें. म्हणुनूच चलात तर- आतां परतोय पळोवया- ह्या नाटकाचो तुमकां मानवत अशेतरेचो शेवट- (परतोय मुळ देखाव- चौगुय पुलीस गळवझा आयल्यात. पावसकार अस्वस्थ. निर्णय जायना)

सगले पुलीस - वाचयात हो, आमकां सोडयात. (पावसकार फुडें सरता. सगल्यांच्यो बेड्यो काडून तांकां सोडयता. सगले जाण खुशालभरीत जावन दाराकडेन धांवतात. वतना उद्गार

सादारणपणान अशें: 'बरे जालें बाबा', 'देव तुजें कल्याण करूं', 'देवूच पावलो आमकां', 'आतां तो प्रभू सुटना' आदी)

हवालदार - उपकार जाले, उपकार जाले, पावसकार सायब.

सावंत - जिवीतभर तुमचें रीण फारीक जावपाचें ना.

सुप. - पावसकार, तुमी खऱ्यांनीच देव मनीस, आमचेर दया केली. ह्या हरामखोराच्या कचाट्यांतल्यान आमकां वाटायले. बेगीन- बेगीन फासाळात. फक्त पंदरा सेकंद उल्ल्यात. (सगले दारामायर धावूंक लागतात. अकस्मात विचार बदलतात)

देसाय - पुण सायबानूं- आतां ह्या पावसकाराक सगलें कळ्ळा आमी -?

सुप. - बेगीन, बेगीन सर फुडें. (सगलेजाण पावसकाराक धरतात. तो किळांचता, काकुळटीक येता, सुटपाक धडपडटा. ते सगलें तांकीसयत ताका जनेलाक बांददात आनी व्हडाव्हडान हांसत खिदळत दारांतल्यान पसार जातात. थोड्याच खिणांभितर व्हडलो फार जाता. (काळोख. कोनशांत उबो आशिल्ल्या पिश्याचेर स्पॉट.)

पिसो - तर लोकांनू, नाटकाची अखेर कितेंय, अशीय जावं येता. निर्णय मात फक्त तुमीच घेवपाचो. विसरूं नाकात. नाटकाची अखेर शेकी तुमच्याच निर्णयाचेर आदारून उरतली.

तुमच्या-

गुड बाय-

-सोंपता-

With

Best Compliments

From

M/s. Jagdish Verekar
&
Brothers

Nirankal Road,

Near Kirti Hotel,

Ponda - Goa.

With Best
Compliments
From

☆ ☆ ☆

BLOW - CAN INDUSTRIES

DATTAPRASAD BUILDING,

MARDOL,

PONDA - GOA